सभापती महोदय, भलायकी खात्याक 963 कोटी रुपया मंजूर केल्यात, तातूंतले 903 कोटी महसूल बाजून जाल्यार 60 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात. म्हजें सरकार भलायकी क्षेत्रांत गरजेची मनीसबळ, उपकरणां आनी यंत्रणा, एम्ब्युलन्स, सुविधा आनी हेर परिधीय गरजां वरवीं वाड करतलें जाचे खातीर भलायकी सेवा संचालनालयाक वाटप 10.8% वाडयला.

सभापती महाशय, हांव अंदूं वर्सासावन नवें 'AYUSH' खातें स्थापन करपाचे जाहीर करतां. ह्या खात्या वरवीं फकत पारंपारीक भारतीय वखदां पद्दतीचेर लक्ष केंद्रीत करतले आनी सगळ्यो आवश्यक सुविधा नागरिकांक दितले.

सभापती महोदय, awareness पातळावपा खातीर पुराय राज्यांत आयुष शिबिरां घडोवन हाडपाचोय प्रस्ताव हांव मांडटां. राज्यांत कार्यरत आशिल्ल्या Wellness केंद्रांक प्रोत्साहन दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय , सुमार 50,000 ज्येश्ठ नागरिकांक आस्पावपी राज्य व्यापी 'Free Adult Vaccination' कार्यावळ सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जांकां Lungs संसर्ग जावपी बॅक्टेरिया पासून राखण दिवपा खातीर 'न्यूमोकोकल लसांचे' डोस दितले. हे खातीर ह्या वर्सा 5 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महाशय , दोनूय जिल्लो हॉस्पिटल ह्या वर्सा सावन केमोथेरपी खातीर 'Day Care Center' सुरू करतले. कॅन्सर हें एक मुखेल भौशीक भलायकी आव्हान आशिल्ल्यान, Population Based Cancer Registry स्थापन करतले आनी PBCR पुराव्याचेर आदारीत निर्णय, कॅन्सर नियंत्रणाचे उपाय आनी भलायकी परिणाम सुदारपाखातीर अमूल्य database तयार करतले . भलायकी सेवा संचालनालयांतल्यान 50 लाख रुपया वर्सुकी अनुदान दिवन सरकार 'Integrative Oncology services' घटमूट करतलें.

सभापती महाशय, दर्जेदार भलायकी सेवा दिवपाची खात्री करपा खातीर 'DDSSY' पॅकेज दर review करपाचो हांव प्रस्ताव दवरता आनी Claim मर्यादा 4 लाख आनी 6 लाख रुपया मेरेन वाडयतले. तशेंच सरकारी कर्मचाऱ्यांक DDSSY कार्यक्षेत्रांत आस्पाव करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाका लागून तांकां गोंयांतल्या खंयच्याय empanelled हॉस्पिटलांत भलायकी सेवा मेळूंक शकतली.

सभापती महाशय, भारतभरांतल्या खंयच्याय हॉस्पिटलांतल्या गरजेवंतांक वेळार आनी त्रासमुक्त वैजकी मजत दिवपा खातीर 'मुख्यमंत्री वैद्यकीय सहायता कक्ष' जाहीर करपाक म्हाका खोस जाता. हो सेल संकश्टांतल्या दुर्येतीच्या वैजकी उपचारा कडेन निधी एकठांय करपा खातीर सगळ्या स्थापन केल्ल्या एजन्सीं कडेन देखरेख आनी समन्वय करतलो.

म्हजें सरकार शाळेच्या पांवड्यार राज्यव्यापी 'Neurodiversity Awareness Initiative' कार्यावळींक Indian Medical Association, Goa unit हांच्या जोडपावलान चालना दितलें जे शिक्षणतज्ञांक अशा भुरग्यांची वेळार वळख दिवपाक आनी तांकां आदार दिवपाक सशक्त करतले. ऑटिझम स्पॅक्ट्रम विकारां विशीं जागृताय निर्माण करप आनी KG शिक्षकांक चिन्नां बेगीन वळखुपाक साधनां सज्ज करप हो ध्येय आसतलो.

सभापती महाशय, Goa Medical College हांगा चड referrals करी नासताना, जिल्लो हॉस्पिटल पातळेचेरच Emergencyचेर उपाय काडपा खातीर म्हजें सरकार दोनूय जिल्लो हॉस्पिटलांनी Level 2 Emergency and Trauma Care Facility सुदारीत करतले जेणे करून दुर्येंतीक वाचोवपाक आमका मदद झातली.

कुंकळ्ळी, मुरगांव, बेतकी आनी मडकय हांगाच्या प्राथमीक भलायकी केंद्राच्या बांदकामाचें काम ह्या अर्थीक वर्सा सुरू जातलें. वेळगें आनी मडगांव हांगा बांदिल्ले AYUSH hospital ह्या वर्सासावन लोकांक सेवा दिवपाक चालू करतले.

## GOA MEDICAL COLLEGE

सभापती महोदय, गोंय वैजकी महाविद्यालयाक 1,063 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. तातूतले 920 कोटी रुपया महसूल खर्चाखातीर जाल्यार 143 कोटी रुपया भांडवल खर्चाखातीर आसात.

सभापती महाशय , गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या ओपीडींतल्या दुर्येंतींक त्रास मुक्त भलायकी सेवा दिवपाच्या हेतान म्हज्या सरकारान 13 विभागांनी ऑनलायन OPD Appointment सुरू केल्या. ही सुविधा ह्या वर्सा जीएमसीच्या सगळ्या विभागांक वाडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. तशेंच ह्या वर्सासावन Telemedicine आनी Tele-ICU सुरु करतले.

सभापती महोदय, हांव ह्या शिक्षणीक वर्सासावन गोंय वैजकी महाविद्यालयांतल्या MBBS जागांची संख्या 200 वयल्यान 250 करपाचो प्रस्ताव दवरता जाचेखातीर राश्ट्रीय वैजुकी आयोगाची मान्यताय अपेक्षीत आसा.

214.83 कोटी रुपया खर्चून 120 खाटींचो Chest and TB हॉस्पिटल ब्लॉक बांदपाचें काम, 30.35 कोटी रुपया खर्चाच्या सुपर स्पेशॅलिटी ब्लॉक लागसार ब्लड बँक बांदपाचें काम, गोंय वैजकी म्हाविद्यालय आनी हॉस्पिटल खातीर 281.24 कोटी रुपया खर्चून कॉलेज ब्लॉक बांदप, 106.40 कोटी रुपयांचें New Resident Doctors हॉस्टेल, तशेंच 125 कोटी रुपयांचें 200 विद्यार्थ्यां खातीर Allied Health Science College and Hostel, हीं सगळीं कामां ह्या वित्तीय वर्सा सावन सुरू जातलीं.

तुयेच्या GMC link Government Hospital आनी संशोधन केंद्राचे वैजकी मुळाव्या सुविधांचे उदरगतीखातीर 20 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

## IPHB

सभापती महाशय , IPHB विभागाक 82 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या, तातूंतले 71 कोटी रुपया महसूलाखातीर जाल्यार 11 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

महाशय, IPHBच्या 100 खाटींच्या हॉस्पिटलांचें बांदकाम डिसेंबर 2026 वर्सा पुराय जातलें आनी Day Care Center प्रकल्प April 2026 सुरू करपाचो प्रस्ताव आसा जाचेर सरकारान ४५ कोटी रुपया खर्च केला.

## Goa Dental College

सभापती महोदय, गोंय दंत महाविद्यालयाक 80 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय , दंत म्हाविद्यालय OPG मशीन, मायक्रोस्कोप, मोबायल डेंटल बस, सर्जिकल युनिट आदी वैजकी उपकरणां आनी यंत्रणां सयत अपग्रेड जातलें जाचे खातीर भरीव तरतूद आसा.

## FOOD AND DRUGS ADMINISTRATION

सभापती महोदय, अन्न आनी वखदां खात्याक 29 कोटी रुपया मंजूर केल्यात.

महाशय, म्हजें सरकार वेगवेगळ्या खाद्य आणि वखदां नमुन्यांचे विश्लेशण करपा खातीर Gas-chromatography मशीन, मायक्रोस्कोप आदी उच्च दर्जाचीं उपकरणां विकतीं घेवन अन्न आनी वखदां प्रयोगशाळांचें अपग्रेडेशन करतलें. Food and Drugs खात्याची गरज भागोवपा खातीर अत्याधुनीक सुविधां वांगडा नवी laboratory इमारत बांदतले.

## INDUSTRIES AND INVESTMENT SECTOR

### Industries, Trade and Commerce

सभापती महाशय , उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खात्याक 108 कोटी रुपया मंजूर केल्यात, तातूंतले 73 कोटी रुपया महसूल बाजून जाल्यार 35 कोटी रूपया भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय , उद्देग नोंदणी आनी उद्देग वाड हांचे मदीं अंतर निर्माण करपी समर्पीत MSME focused administrative संरचनेचो अभाव सोडोवपा खातीर, गोंयांतल्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग क्षेत्राचेर प्रशासकीय लक्ष हाडपा खातीर 'Industries, Trade and Commerce' संचालनालयाचें नांव 'MSME,Industries, Trade and Commerce' संचालनालय अशें बदलतले. नोंदणी सुलभताये पासून उद्देग उदरगत, स्पर्धात्मकता आनी यंत्रणा घटमूट करपा मेरेन संचालनालयाची भुमिका हातूंतल्यान दिश्टी पडटली.

सभापती महाशय , 'Chief Minister's MSME Innovate Scheme, 2026' सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जी वेंचून काडिल्ल्या प्रोत्साहन येवजण्यांचो फायदो वाडोवपाचो यत्न करतली आनी ताका लागून MSME क्षेत्रांत नवनिर्माण आनी स्पर्धात्मकता वाडटली. MSME'स संशोधन आनी विकास, बौध्दिक मालमत्ता निर्मिती, incubation आदार, seed capital, skill development, salary reimbursement आनी operational support अशा नवनिर्माण संबंदीत कार्यावळीं खातीर अर्थीक आदार दितले जाचे खातीर 1 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

तशेंच Green investment promotion, ब्रँडींग आनी वेपार प्रसार करपा खातीर चार वेगवेगळ्यो MSME येवजण्यो सुरू करपाचो आनी राज्यांतल्या सगळ्या एमएसएमई कार्यावळींक एकत्रीत MSME आदार दिवपाचो प्रस्तावूय हांव मांडटा. हे येवजणे खातीर 5 कोटी रुपया दवरल्यात. ह्यो येवजण्यो परतफेडीच्या रुपांत प्रोत्साहन दितल्यो आनी खर्चाच्या 80% मेरेन अनुदान दितले जाका लागून राज्यांतल्या MSME क्षेत्राक व्हड चालना मेळटली. राज्यात MSME रोजगार वाडोवपाखातीर, employment subsidy येवजणेखाला दर एका MSME खातीर सध्याच्या २५ लाख रुपया मर्यादा वाडोवन ३० लाख रुपया करपाचो प्रस्ताव हांव दवरता.

सगळ्या MSME गरजेचेर उपाय काडपा खातीर One Stop डिजिटल पोर्टल आशिल्लें 'Unified Digital Platform' अंदूं सुरू जातलें. तशेंच, पिळर्ण उद्‌गीक वसाहतींत 3 कोटी रुपया खर्चून स्मार्ट सीसीटीव्ही सर्व्हेलन्स प्रणाली स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

उद्देगीक वाठारांनी पर्यावरण सुरक्षीत दवरपाखातीर घन कोयर वेवस्थापन पद्दत तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. वेर्णा, मडकय, कुंकळ्ळे, तुयें आनी पिसुर्ले ह्यो पांच मुखेल वसाहती लागसारच्या वसाहतींतल्यान कोयर वेवस्थापन करपी Nodal Cluster म्हणून काम करतले आनी 800 square meter centralized कोयर वेवस्थापन शेडा वरवीं कचरो वेवस्थापन करतले.

सभापती महाशय, म्हजें सरकार राज्यांतली गुंतवणूकदार सुलभताय प्रक्रिया सुगम आनी डिजिटल करपा खातीर Integrated Single Window Approval प्रणाली तयार करतले.

राज्यांतल्या मुखेल उद्देगीक वाठारांनी common Effluent Treatment Plant निर्माण करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हे खातीर अंदूं गोंय आयडीसीक वट्ट 30 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. वेर्णा, मडकय आनी तुयें उद्देगीक इस्टेट हांगा Working Women Hostel बांदपाचें काम 100 कोटी रुपया खर्च करून ह्या अर्थीक वर्सा पुराय जातले.

सभापती महोदय, सरकाराच्या सगल्या एजन्सीनी केल्ल्या सगळ्या मुळाव्या साधनसुविधा कामां खातीर 'PM-Gatishakti Portal' वापर करपी देशांतलें एक मुखेल राज्य गोंय हें सांगपाक खोशी जाता आनी ताका लागून प्रकल्पांची अंमलबजावणी करतना वेगवेगळ्या एका परस चड खात्यां कडल्यान प्रभावी समन्वय आनी नियोजन सुनिश्चीत जाता.

सभापती महाशय , उद्देग खात्या भितर एक 'IPO Cell' तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां जो गोंयच्या SMEक भौशीक नोंदणी करपाचे प्रवासांत आदार दितलो.

सभापती महाशय , जागतीक वेपारा खातीर गोंयच्या MSMEक सशक्त करपाच्या हेतान 'Mukhyamantri Export Incentive Scheme' चालीक लावपाचो प्रस्ताव मांडटात. हाचे अंतर्गत, 50 MSME's खातीर दोन वर्सां खातीर वर्साक 4 लाख रुपया दिवपाची तरतूद first come first serve तत्वाचेर आसतली आनी हाजेखातीर 2 कोटी रुपयाची तरतूद केल्यात.

सभापती महाशय, First Generation Entrepreneurs हांका आनी थळाव्या रोजगार निर्मिती खातीर प्रोत्साहन दिवपा खातीर अर्थीक सुलभताय, कुशळटाय आनी handholding खातीर women-led आनी youth-led MSME खातीर 'Special Support Window' तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, गोंयच्या कच्च्या काजूची खरेदी घटमूट करपा खातीर आनी ग्रामीण अर्थवेवस्थेंत सुदारणा हाडपा खातीर 'Mukhyamantri Modified Interest Rebate' scheme खाला कच्चो काजू खरेदी करपा खातीर working capital loan दिवपाची येवजण अंदूं चालीक लागतली.

फाटल्या वर्साच्या काळांत Goa - IPB हांणी 1,117 कोटी रुपया प्रस्तावीत गुंतवणूक आशिल्ल्या 31 प्रकल्पांक मान्यताय दिली, जाका लागून वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या सुमार 4,950 कर्मचाऱ्यांक रोजगार मेळटलो अशी अपेक्षा आसा. गोवा-आयपीबीन राज्यांतल्या म्हत्वाच्या आंतरराष्ट्रीय गुंतवणुकींचें ग्राउंडिंग करपाक चालू केला जातूंत Eurostampa India Private Limited आनी Netzch Technologies India Private Limited ह्या दोनूय foreign कंपन्यांनी 166 कोटी रुपयाची गुंतवणूक केल्या आणि 1,308 रोजगार संधी तयार केल्या. गोंयांतल्या उद्देगीक कंपनींनी Research and Development करपी गोंयच्या तरणाट्यांक आदार दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## Human Resource Development Department

सभापती महाशय , कामगार खात्याक दिल्लें वाटप 101.01 कोटी रुपया आसा.

महाशय, म्हज्या सरकारान गोंयाक unorganized क्षेत्राखातीर single unified marketplace म्हूण “ई-मार्केट पोर्टल” विकसीत करपाचें आश्वासन दिल्लें. ह्या अर्थीक वर्सा गोंयकारांक रोजगार वाडोवन दिवपाखातीर हें पोर्टल सुरू करतले.

गोंय राज्य समाजीक सुरक्षा मंडळाच्या प्रशासनाची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर Unorganized Social Security Act, 2008 खरपणान चालीक लावपाचे प्रक्रियेंत म्हजें सरकार आसा जें असंघटीत कामगारांचे समाजीक सुरक्षा सुनिश्चित करतलें.

सभापती महाशय, GHRDC वरवीं खाजगी उद्देगां खातीर Employment Subsidy scheme चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जंय GHRDCन दिल्ल्या प्रत्यक्ष पगार आनी कंपनीन अशा उमेदवारांक दिल्ल्या पगारांतलो gap funding तीन वर्सां खातीर सरकारान घेतलो. खाजगी क्षेत्रांत गोंयकारांचो रोजगार वाडोवपाचो हे येवजणेचो हेत आसा.

सभापती महाशय, म्हाका सांगपाक खोस जाता की ESI म्हामंडळ अंदूं दक्षिण गोंयांत वैजकी म्हाविद्यालय स्थापन करतलें जातून 50% seats हें गोयंकारक आसतले आनी जाका लागून राज्यांतल्या नागरिकां खातीर भलायकी सेवेंत अफाट सुदारणा जातली.

## Employment

सभापती महोदय, रोजगार खात्याक 8.65 कोटी रुपयांची तजवीज आसा.

सभापती महाशय, म्हजें सरकार मॉडेल करिअर सेंटर म्हणून अपग्रेड केल्ल्या Employment Exchange हाका एक व्यापक Employment Facilitation Hub म्हणून काम करपाक strengthen करतलें. एक एकत्रीत ऑनलायन सेवा सुरू केल्या जाचेर नोकरी सोदप्यांक डिजिटल रितीन नोंदणी करपाक मेळटली तशेंच नियोक्ते व्यापक प्रसार करपा खातीर आपल्यो रितीं सुवाती ऑनलायन पोस्ट करूंक शकतात. मॉडेल करिअर सेंटरान करिअर मार्गदर्शन/समुपदेशन, सॉफ्ट स्किल प्रशिक्षणाचेर परिसंवाद, Civil Service स्पर्धात्मक परिक्षेचेर सत्र (GPSC आनी UPSC), बँकिंग आनी रेल्वे परिक्षेचेर तयारी, उद्देजकतेचेर सत्र, नोकरी मेळावे आनी प्लेसमेंट ड्रायव्ह अश्यो वेगवेगळ्यो कार्यावळी घडोवन हाडल्यात.

## FACTORIES AND BOILERS

सभापती महोदय, कारखानो आनी बायलर खात्याक 15 कोटी रूपयांची तजवीज आसा, तातूंतले 12 कोटी महसूलाखातीर जाल्यार 3 कोटी भांडवल खर्चाखातीर आसात.

सभापती महाशय , ल्हान आनी मध्यम उद्देगांत वेवसायीक सुरक्षीतताय घटमूट करपा खातीर म्हजें सरकार कारखान्यां खातीर Human Resource Development Foundation हाज्यामार्फत ‘Safety Supervisors’ course सुरू करपाचो प्रस्ताव मांडटा जो compliance सुदारपाक, अपघात उणे करपाक आनी पुराय MSME क्षेत्रांत सकारात्मक सुरक्षा वाडोवपाक मदत करतलो. उद्देगीक सुरक्षीतताय आनी धोक्यांचेर दोतोरांक प्रशिक्षण दिवपाक ‘Associate Fellow in Industrial Health’ हो अभ्यासक्रमय अंदूं चालू करतले.

अंदाजे 14.60 कोटी रुपया खर्च करून सौर Photo voltaic वीज निर्मिती प्रणाली स्थापन करपा वांगडाच नव्या कार्यालय इमारतीच्या पुनर्बांदणीचें काम ह्या वर्सा पुराय जातलें.

## MINES

सभापती महोदय, खाण खात्याक 26 कोटी रुपयांची तरतूद आसा.

सभापती महाशय , म्हज्या सरकारान 3 NITत 12 Iron ore ब्लॉकांचो यशस्वीपणान लिलाव केल्यात. तातूंतले दिवचल, शिरगांव-मयां माँत द सिरिगाओ, अडवालपाल-थिवी आनी कुडणे-कोरमोलें हांगाचे 5 ब्लॉक कार्यरत आसात हें जाहीर करपाक म्हाका खोस जाता. राज्य सरकाराक सगल्या 12 ब्लॉकां कडल्यान अपफ्रंट पेमेंट म्हणून 252.83 कोटी रुपयांची येणावळ मेळ्ळ्या. आनीक 7 ब्लॉक पर्यावरण मंजुरी आनी हेर परवानगी मेळोवपाचे प्रक्रियेंत आसात. म्हजें सरकार ब्लॉकांच्या लिलावा खातीर चवथी एनआयटी आनी डंपांच्या ई-लिलावा खातीर दुसरो टप्पो सुरू करपाचे प्रक्रियेंत आसा.

सभापती महाशय, टिपर ट्रक मालकांक अर्थीक मजत दिवपा खातीर 'Reimbursement of Green Tax and fitness fee for mining affected truck owners' ही येवजण ह्या वर्सा चालू उरतली आनी हाचे खातीर 4 कोटी रुपयांची तरतूद आसा. तशेंच गोंय अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयांत 3 कोटी रुपया खर्चून Ore ग्रेड चांचणी प्रयोगशाळा स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय, खण प्रभावित बार्ज मालकांक तांच्या बार्जांची दुरुस्ती करपा खातीर अर्थीक संस्थे वरवीं सॉफ्ट लोनाच्या रुपांत अर्थीक मजत दिवपाची येवजण चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## INFORMATION TECHNOLOGY, ELECTRONICS AND COMMUNICATIONS

सभापती महोदय, म्हायती तंत्रज्ञान खात्याक 189 कोटी रुपयांची तरतूद आसा, तातूंतले 116 कोटी रुपया महसूलाखातीर आनी 73कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महोदय, नागरीक-केंद्रीत सेवा साद्य, कार्यक्षम आनी पारदर्शक पद्दतीन दिवपा खातीर एकवटीत 'गोवा मोबायल' App तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हें app एका परस चड विभागीय सेवांचो वापर करपा खातीर, प्रत्यक्ष भेटी  आनी कागदपत्रां उणीं करपाखातीर एकूच डिजिटल इंटरफेस म्हूण काम करतलो आनी हेखातीर 1 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय , Ease of Doing  करपाखातीर Goa Online पोर्टलाची सुमार 4 कोटी रुपया खर्च करून  सुदारणा करतले. म्हाका हें सांगपाक खोस भोगता की 'AI chat with Messaging Platform' हेंय ह्या वर्सा लागू करतले.

सभापती महाशय , राज्यांत स्टार्टअप संस्कृताय वाडोवपाच्या हेतान हांव गोवा स्टार्टअप धोरण, 2025 खाला 4 नव्यो येवजण्यो Campus Innovation Scheme, Promotion and Marketing Assistance Scheme, Women Entrepreneur Vitality Scheme आनी Skill Enhancement Scheme हाजेखातीर 10 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, गोंयच्या दर्यादेगांचेर nomads आनी remote workers हाका आकर्शीत करपाखातीर काम आनी विश्रांती हांचो मेळ घालून दर्यादेगांचेर Coworking Spaces विकसीत करपाचें काम ह्या वर्सा सावन सुरू जातलें.

सभापती महाशय , GBBN 2.0 चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जी राज्यभरांतल्या 414 PoP हांकां जोडटली, सगळ्या सरकारी कार्यालयांक उच्च गती, सुरक्षीत आनी स्केलेबल कनेक्टिव्हिटी दितली आनी प्रशासन आनी भौशीक वितरणाखातीर अखंड डिजिटल सेवा सुनिश्चीत करतली. GBBN 2.0 व्यतिरीक्त, म्हजें सरकार राज्यभरांतल्या सुमार 1,605 सुवातींनी आस्पावपी विस्तारीत GBBN नेटवर्कय घटमूट करतलें.

सभापती महाशय, राज्यांतल्या scaling कंपन्यांक आदार दिवन गोंयची IT इकोसिस्टम घटमूट करपा खातीर, हांव First Come First Served ह्या तत्वाचेर 20 कंपन्यांखातीर उण्यांत उणे 50 पूर्णवेळ गोंयकार कर्मचारी कामाक घेवपी गोंयच्या IT/ITeS कंपनींक दर वर्सा 5 लाख रूपया दिवपाचो प्रस्ताव मांडटा आनी हेखातीर 1 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

## SCIENCE, TECHNOLOGY AND WASTE MANAGEMENT

सभापती महाशय, ह्या खात्याक 170 कोटी रुपया मंजूर केल्यात. तातूंतले 126 कोटी रुपया महसूलाक आनी 44 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय , बेकायदेशीर कोयर उडोवपाच्या धोक्याक प्रभावीपणान मात दिवपाक कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाक घटमूट करपा खातीर, थारायिल्ल्या वाठारांत ‘Waste Management Inspectors’ नियुक्त करप आनी कोयर वेवस्थापन कायदो आनी नेमांची अंमलबजावणी करपा खातीर तांकां incentive दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां जाका लागून ह्या वाठारांनी नितळसाण सुनिश्चीत जातली.

सभापती महाशय, म्हजें सरकार महामार्गावेली कोयर निवळ करपाचीं कामां, rdf movement & Tracking, सुको कोयर एकठांय करपाची पद्दत आनी वेळापत्रक यंत्रणा एकाच डिजिटल पर्यावरण प्रणालींत एकठांय करून GWMC वरवीं Integrated डिजिटल ऑपरेशन्स प्लॅटफॉर्म चालीक लायतलें.

सभापती महाशय , पुराय गोंयांत Waste Management प्रभावीपणान करपा खातीर सौर उर्जेचे कॅमेरे स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हे कॅमेरे निवळ उर्जेचेर चलतले आनी कोयर उडोवप, सेग्रीगेशन हाचेर नदर दवरपा बरोबरूच भौशीक सुवातींनी नितळसाण सुनिश्चीत करपाक मदत करतले, जातूंत पयसुल्ल्या आनी ऑफ ग्रिड वाठारांचो आसपाव आसा आनी हाचे 2 कोटी रुपयांची तरतूद आसा.

सभापती महाशय, MoHUA हाज्या अंतर्गत GWMC हें स्वछता knowledge पार्टनर म्हणून लिस्ट जालां. भारतभरांतल्या कोयर वेवस्थापनांत संस्थांक प्रशिक्षण दिवपा खातीर ‘Center of Excellence’ तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, गोंयची संशोधन पर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपा खातीर Goa State Innovation Council वरवीं Centralized Digital Research Portal तयार करतले, जी गोंयांतल्या विद्यापिठां, म्हाविद्यालयांनी आनी अनुसंधान आनी विकास संस्थां कडल्यान संशोधन प्रकाशनां एकठांय करतले आनी राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार गोंयांतल्या संशोधनाक चालना दितलें.

सभापती महाशय, म्हजें सरकार ह्या वर्सा सावन हायस्कूल विद्यार्थ्यां खातीर Astronomy/Space Science विज्ञानांतली नवी lecture series सुरू करतलें. गोंय राज्य रिमोट सेन्सिंग सेंटर, बायोटेक पार्क आनी जीआय प्रमाणीकरण आनी ब्रँडींगा खातीर जीआय बोर्ड अंदूं काम करपाक सुरवात करतले अशें सांगपाक म्हाका खोस जाता.

सभापती महाशय, Goa Spatial Data Infrastructure Project' वट्ट 26.59 कोटी रुपया खर्च करून केंद्र सरकाराच्या आदारान चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, सगळ्या उद्देगी क्षेत्रांनी 100% कंपोस्ट करपाक येवपी biodegradable पोतयो सुरू करपाक plastic मुक्त धोरण आमी चालीक लायतले .

## LEGAL METROLOGY

सभापती महोदय, Legal Metrology विभागाक 14 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, नागरिकांक शिक्षीत करपाचे म्हत्व वळखून खातें वेगवेगळ्या कार्यावळीं वरवीं गिरायक हक्कां विशीं जागृताय करपाक सक्रीय आसा. येवपी वर्सा म्हज्या सरकारान अशा तरेच्यो चड गिरायक केंद्रीत कार्यावळी करपाची येवजण दवरल्या.

खात्याची स्पॉट तपासणी करपाची आनी वेपाऱ्यांच्या गैरवेव्हारांचेर प्रभावीपणान आळाबंदा हाडपा खातीर, कायदेशीर मापशास्त्र मानकांचें पालन सुनिश्चीत करपा खातीर मोबायल प्रयोगशाळा स्थापन करपा खातीर खाशेलें वाहन आनी उपकरणां स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. खात्याच्यो ऑनलायन सेवा केंद्र सरकाराच्या e-MAAP portal अर्जांत एकठांय करतले जाका लागून सुलभताय वाडटली आनी कायदेशीर मापन सेवा संबंदीत प्रक्रिया सुगम जातली.

## FOREST AND ENVIRONMENT SECTOR

## FORESTS

सभापती महाशय, रान खात्याक दिल्लें वाटप 199 कोटी रुपया आसा, तातूंतले 194 कोटी रुपया महसूलाखातीर जाल्यार 5 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय , म्हज्या सरकारान भारताच्या मानादीक प्रधानमंत्री हांची 'एक पेड मा के नाम' ही संकल्पना सक्रियपणान चालीक लायल्या. 2.01 लाख रोंपे रोवपाच्या ध्येया आड रान खात्यान हेर वेगवेगळ्या राज्य सरकार खात्याच्या समन्वयान 2.19 लाख रोपयो लायल्यात आनी सेवा पर्व मोहिमेच्या निमतान खासा 10 हजार रोंपे लायल्यात.

सभापती महाशय, कांपाल हांगसरल्या फॉरेस्ट पार्काची उदरगत भौशीक बांदकाम खात्या वरवीं जातली जाचे खातीर 5 कोटी रुपयांची तरतूद आसा. 'गोवा काजू फेस्त' सयत आपले नेमान कार्यावळ करपा खातीर Goa Forest Development Corporation खातीर 25.65 कोटी रुपयांची तजवीज केल्यात.

सभापती महाशय, गोंय राज्यांचे भगवान महावीर वन्यजीव अभयारण्य, मोलें राश्ट्रीय उद्यान, खोतीगांव वन्यजीव अभयारण्य, बोंडला वन्यजीव अभयारण्य, म्हादई वन्यजीव अभयारण्य, नेत्रावळी वन्यजीव अभयारण्य आनी डॉ. सलीम अली पक्षी अभयारण्य हांगा वेगवेगळ्या उपक्रमांतल्यान eco-tourism वाडोवपाचो प्रस्ताव मांडटां.

सभापती महाशय, म्हज्या सरकारान फोंड्यांतल्या बेतोडा हांगा रानवटी जनावरांक अत्याधुनीक Rescue and Rehabilitation सुविधा स्थापन करपा खातीर पुणेच्या ResQ

चॅरिटेबल ट्रस्ट कडेन MoU केला. तशेंच राज्यांतल्या Forest fire खातीर Early Warning प्रणाली तयार करपा खातीर आमी BITS Pilani कडेन MoU केला जो रानांतल्या उज्याची प्रत्यक्ष घडणूक घडचे पयलीं इशारो जारी करतली.

ह्या वर्सा पुराय जावपाचे आशिल्ले फुडले प्रकल्प

| SN | Work | Total amount ( in crores) |
|---|---|---|
| 1. | Improvement to the walkway from main gate to sitting deck at Dr. Salim Ali Bird Sanctuary, Chorao | 6.54 crores |
| 2. | Demolition of ticket counter and construction Administrative Block for Forest Department at Chodan | 0.80 crores |

बोंडला प्राणीसंग्रहांलयांतल्या उद्याना खातीर Entrance Plaza बांदपाचें काम ह्या वर्सा सावन 6.92 कोटी रुपया खर्चून सुरू जातलें.

## ENVIRONMENT

सभापती महोदय, पर्यावरण खात्याक 16 कोटी रुपया वाटप आसा.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान Coastal Zone Management Plan 2011 निश्चित केल्या आनी Coastal Zone Management Plan 2019 finalization करपाचें काम चालू आसा.

सभापती महोदय, Goa State Biodiversity Board वरवीं मिठागर आनी हेर अशे पारंपारीक तरीय पर्यावरण अनुकूल उपक्रमांची राखण करपाची येवजण चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हे खातीर 1 कोटी रुपया पर्यावरण खात्या खातीर वाटप जाल्यात.

सभापती महोदय, राज्यांतल्या खाजन जमनीची जतनाय घेवपा खातीर निधी दिवपा खातीर निती आयोगान पयलींच तत्वीक मान्यताय दिल्या हें जाहीर करपाक म्हाका खोस जाता. खाजण जमनीची प्रभावीपणान जतनाय घेवप आनी ही संवेदनशील पर्यावरण यंत्रणा तिगोवन दवरपाखातीर खाजण जमनीचो पुराय विशय आनी तांचे नेम आनी संरक्षण Agriculture खात्याखाला हाडटले, जो आतां सावन खाजण प्रकरणां हाताळपी एकूच विभाग आसतलो. हे खातीर स्थापन केल्लें Khazan Board शेतकी खात्या खाला काम करतलें.

सभापती महाशय, Goa State Biodiversity Board वरवीं Govan ब्रँडाचें संचालन, वेवस्थापन आनी marketing आनी ब्रँडींग करपा खातीर 1.50 कोटी रुपया केल्यात.

सभापती महाशय, जैव विविधताय वेवस्थापन समित्यां खातीर अर्थीक मजत संविधान, कार्यक्षमताय आनी देखरेख हांचे खातीर 1 कोटी रुपयाची तरतूद केल्यात. लोक जैवविविधताय नोंदणी तयार करपा खातीर अर्थीक मजतीचे येवजणे खातीर 1 कोटी रुपया थारायल्यात.

सभापती महोदय, तज्ञ आनी वेगवेगळ्या संघटनांक गुंतून 'विकसीत गोवा 2037' कार्यावळी खातीर sustainable घटकांचेर काम करपाच्या हेतान 1 कोटी रुपया थारायल्यात. हवामान आनी आपत्ती प्रतिरोधक green गोंयचे उदरगती खातीर Climate Change Cell खातीर 70 लाख रुपया प्रस्तावीत केल्यात.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान राज्यांतल्या notified wetland वाठारां खातीर एकत्रीत वेवस्थापन, निरिक्षण, जीर्णोध्दार, पुनरुज्जीवन, संवर्धन आनी सैमाचेर आदारिल्ले उपाय दिवपा खातीर 1.40 कोटी रुपयाची तरतूद केल्या. **'श्रम शक्ति से जल समृद्धी'**च्या येवजणे खातीर 1 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या, जंय lake management समित्यो wetland वाठारांक पोशण दिवपी notified wetland वाठारांचो वेवस्थापन सुनिश्चीत करूंक शकतात.

हवामान बदला खातीर Goa State Action Plan for Climate Change, Energy Vision Plan, Viksit Goa आनी हेर धोरणांचेर यशस्वी लक्ष्य साध्य करपा खातीर आनी विकसीत शाश्वत गोंयांत sustainability जोडून **'Goa's Umbrella Programme- Climate and Disaster Resilient Greener Goa'** जाहीर करपाक म्हज्या सरकाराक खोस जाता.

पर्यावरण यंत्रणेंतल्यान resilience वाडोवप, Low Carbon pathways accelerate करप आनी Climate Resilience उपक्रमांक आदार दिवपाक केंद्र आनी राज्य सरकार हांचे मदीं वेगवेगळ्या अर्थीक मिश्रणाच्या 70:30 convergence करुन 1,650 कोटी रुपया खर्च प्रस्तावीत केला. दोन वर्सांच्या काळा भितर हो कार्यक्रम कार्यान्वीत करपाची म्हजी येवजण आसा आनी Economic Affairs खात्याच्या Project Steering कमिटीन ह्या प्रकल्पा खातीर तत्वीक मान्यताय दिल्या. हो प्रकल्प बेगीन आनी हस्तक्षेपा बगर चालीक लावपा खातीर SPV तयार करतले.

सभापती महाशय, राज्य पांवड्यावेली **carbon monetization mechanism** तयार करपा खातीर पर्यावरण खात्या खाला **'State Carbon Nodal Cell'** स्थापन करपाचो प्रस्ताव आसा, जाका लागून पर्यावरणीय गुंतवणूक savings जातले.

## SWAYAMPURNA SECTOR

### Panchayat

सभापती महोदय, पंचायती खात्याक 293 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या. तातूंतले 249 कोटी रुपया महसूलाखातीर जाल्यार 44 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय, तिसऱ्या राज्य वित्त आयोगाच्या शिफारशी प्रमाण, वेगवेगळ्या ग्रामीण थळाव्या संस्थांनी हवामान बदलाक लागून निर्माण जावपी वेगवेगळ्या पर्यावरणीय प्रश्नांक तोंड दिवपा खातीर 10 कोटी रुपयांचो "Climate Change Fund" स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, स्वताच्या मालकीच्या जाग्यात बांदिल्ल्या बांधकामांक EHN number दिवन तांका उदक आणि वीज जोडणी दिवपाचे आमी थारायला.

राज्यातल्या विविध वाठारांनी पंचायत घर, मार्केट कॉम्प्लेक्स, कम्युनिटी हॉल बांदकामाचें काम ह्या अर्थीक वर्सा सावन सुरू जातलें. ह्या मुळाव्या साधनसुविधा उदरगती खातीर 'Deendayal Infrastructure Development Scheme' येवजणे खातीर वट्ट 15.5 कोटी रुपया भांडवल खर्चाची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, दुबळ्या पंचायतींक तेंको दिवपाच्या हेतान 14.50 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. दोनूय जिल्ल्यांतल्या जिल्लो पंचायतींक आनीक घटमूट करपा खातीर वट्ट 34 कोटी रुपयांची तरतूद पुरवण केल्या.

जिल्हा पंचायत वांगड्याच्या कामाच्या अधिकारक्षेत्राचो व्याप्ती वाडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. तांचो विकासात्मक निधी तांच्या तांच्या मतदारसंघांतल्या सामुदायिक शेती कार्यावळी खातीर आनी कोयर वेवस्थापन उपक्रमां खातीर वापरपाक दिवपाचो प्रस्ताव दवरता.

सभापती महाशय, ZP, सरपंच आनी पंच हांचे मानधन दर म्हयन्याक 5 हजार रुपयानी वाडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय , ग्रामीण थळाव्या संस्थांनी Accounting Discrepancy पयस करपा खातीर, ‘Uniform model accounting format’ सगळ्या पंचायत थरांचेर एकसारको आदर्श तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## AGRICULTURE

सभापती महोदय, कृषी खात्याक 293 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या, तातूंतले 258 कोटी रुपया महसूल खर्चाखातीर आनी 35 कोटी रुपया भांडवल खर्चाखातीर आसात.

सभापती महोदय, "Pradhan Mantri Krishi Sinchayee Yojana" वरवीं हांव 5 वर्सांभितर वट्ट 84,476 हेक्टर क्षेत्राखातीर 10 watershed प्रकल्प हातांत घेवपाक आनी तेखातीर 236.53 कोटी रुपयांच्या अर्थिक खर्चाचो प्रस्ताव दवरता. राज्यांतल्या शेतकऱ्यांची Registry तयार करपाखातीर शेतकाऱ्यांक Digital Identity दिवपाचो प्रस्तावूय हांव दवरता, तातूंत शेतकाऱ्यांचो लोकसंख्या तपशील, जमीन मालकी आनी जें पीक रोयलां ताचो व्यापक Data आसतलो.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान “गोंयचें अमृतकाल शेतकी धोरण 2025” तयार केलां, जाचो हेतू शेतकारांच्या समृध्दीचेर, अन्न सुरक्षा आनी Climate Resilience चेर लक्ष केंद्रीत करून शेतकी क्षेत्राचें आधुनिकीकरण करपाचो आसा. ह्या धोरणाची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर ह्या वर्सा 20 कोटी रुपयांची तरतूद केल्यात. तशेंच राज्यांत पडीक जमनी टाळपा खातीर ‘Contractual Community’ शेतीक प्रोत्साहन दिवपाचोय प्रस्ताव हांव मांडटां जाका ह्या धोरणाच्या अंतर्गत आर्थिक मदद मेळटली.

शेतकी खात्याच्या डिजिटल प्लॅटफॉर्माची सुदारणा करपाक आनी येवजण्यांचेर ऑनलायन प्रक्रिया आनी अनुदान दिवपा खातीर “M-Krishi” portal हाजेर अर्ज सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

गोंय कृशी म्हाविद्यालयाक ICAR कडल्यान मान्यताय मेळ्ळ्या आनी ती येसस्वीपणान कार्यरत आसा.

सभापती महाशय, बांदकाम साहित्य आनी गवंडीकाम शुल्काचे दर वर्सा वाडत आशिल्ल्यान ‘Organic Manure Unit/ Vermicompost Unit’ हे येवजणे खाला मेळपी 2,600 प्रति घन मीटर ची अर्थीक मजत वाडोवन ती 5,000 प्रति घन मिटर करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय , ‘Drip Irrigation system for promotion of vegetable cultivation’ चालीक लावपा खातीर अर्थीक मजत दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जी उत्पादन केल्ल्या भाजयेच्या प्रमाणाचेर आदारीत परतफेड तत्वाचेर आसतली जाचे खातीर अर्थसंकल्पीय वाटप 2.40 कोटी रुपया केल्यात.

सभापती महाशय , काजूचें थारायिल्लें मोल वाडोवपासयत ST शेतकारांक अतिरिक्त मजत दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाचे खातीर वट्ट अर्थसंकल्पांत 25 कोटी रुपयांची वेवस्था केल्या. तशेंच काजूच्या नव्या जातींचो प्रसार गोंयच्या शेतकारांक reasonable दरान वितरण करपाक मेळचो म्हूण Directorate of Cashew and Cocoa Development, Kochi वरवीं सरकारी कृषी फार्म कोडार आनी कालय हांगा काजूच्या नवीन सुदारीत जातींचो काजू Mother Block चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटा.

महाशय, केंद्रीय अर्थसंकल्पांत काजू उदरगतीचेर भर दिला. अंदू कृशी खात्या खाला ‘Goa State Cashew Board’ स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाचे खातीर 2 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

महाशय, सुमार 13 खाजन बांध संबंधी कामां (तिसवाडींत 01, फोंड्या 04, दिवचले 04, साश्टी तालुक्यांत 01 आनी बार्देज तालुक्यांत 03) हीं सुमार 25 कोटी रुपयांची कामां ह्या वर्सा पुराय जावपाची शक्यताय आसा आनी तिसवाडी, फोंडा आनी मुरगांव तालुक्यांत नवीं कामां हातांत घेवपाचो प्रस्ताव आसा.

मोपा हांगा मनोहर विमानतळार APEDA norms प्रमाणे पॅकहाउस ह्या वर्सा पुराय जातलें तशेंच  सांखळी आनी कुडचडे हांगा नवे मार्केट यार्ड कॉम्प्लेक्स बांदपाक सुरवात जातली. PM Dhan Dhanya Krishi येवजणेचो एक भाग म्हूण मडगांव मार्केट यार्डांत Cold Storage आनी Ripening Chamber बांदपाचो प्रस्ताव आसा.

## ANIMAL HUSBANDRY AND VETERINARY SERVICES

सभापती महाशय , पशुपालन आनी पशुवैजकी सेवा खात्याक 190 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या, तातूंतले 176 कोटी रुपया महसूलाक आसा आनी 14 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय , गोंय पशुवैजकी आनी पशु विज्ञान महाविद्यालय कुट्टी फोंडा हांगा फुडल्या शिक्षणीक वर्सा सावन अभ्यासक्रम सुरू करतले.

सभापती महोदय, 2026-27 वित्तीय वर्सा रूपया 5 कोटींची तजवीज करून Old Goa हांगा नवो पशुवैजकी दवाखानो बांदपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जातूंत शेतकारांक दवाखानो आनी प्रशिक्षण हॉल आसतलो.

सभापती महोदय, राज्यांत दुदाच्या उत्पादनाक चालना दिवपा खातीर अतिरिक्त अनुदान सयत अतिरिक्त 10 गाय खरेदी करपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर ‘कामधेनू’ येवजणेंत दुरुस्ती करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय, ‘Stray Cattle Management’ येवजणे खाला 2025-26 वर्सा सगळ्या NGOक 35 कोटी मंजुरी मेळ्ळी आनी सध्या राज्यांतले 8 गौशाला येवजणेचो लाव घेतात आनी वट्ट 7,055 भटक्या गोरवांक रस्त्यां वयल्यान आनी भौशीक सुवातीं वयल्यान सोडयल्यात. अंदू ही येवजण आनीक घटमूट करतले.

सभापती महोदय, 'Goa Small Animal Rescue Management' येवजणे खाला , आमी 2025-26 वर्सा 4,600 सुण्यांक sterilize केल्यात. ही मोहीम अंदूंय चालू उरतली. तशेंच ह्या वर्सा 24x7 जनावराखातीर मोबायल एम्ब्युलन्स सुरू जातली.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान उसगांवां PPP तत्वाचेर veterinary facility ह्या वर्सा चालू करपाचे थारायला. 'Mission Rabies' खाला म्हज्या सरकारान फाटल्या 3 वर्सांत 1.26 lakh भटक्या सुण्यांक लस दिल्या अशें सांगपाक म्हाका खोस जाता.

सभापती महोदय, म्हजे सरकार poultry पोसपाच्या कार्यावळीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर आनी दर्जेदार species पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर 'Poultry Board' ह्या वर्सासावन चालू करतले.

## FISHERIES

सभापती महोदय, नुस्तेमारी खात्याक 73 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या, तातूंतले महसूलाखातीर 49 कोटी आनी 24 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय ,दर्यादिगेवेली निरिक्षण आनी अंमलबजावणी यंत्रणा घटमूट आनी पूरक करपा खातीर सुमार 1.35 कोटी रुपयांची Unmanned Aerial Vehicles वापरपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. केंद्र सरकाराच्या पालवान राज्यांतल्या सगल्या नुस्तेमारी जहाजांचेर transponder लावपाचें काम ह्या वर्सा सावन सुरू जातलें.

सभापती महाशय, प्रधान मंत्री मत्स्य संपदा योजना खाला दोन **'Development of Climate Resilient Coastal Fishermen Villages'** 4.12 कोटी रुपया खर्च करून हातांत घेवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. शापोरा फिशिंग जेटीची दुरुस्ती कामां, धावजी, कुंडय हांगा रॅम्प बांदप आनी नेट मेन्डींग शेड बांदप, कुटबण जेटीचेर STP, सोलर स्ट्रीटलायट स्थापन करपाचे काम ह्या वर्सा हातांत घेतले.

सभापती महाशय, नाबार्डाच्या आदारान मांद्रे हांगा 'Modern Integrated Village' विकसीत करप आनी पाळोळे हांगा 'Modern Community Post-harvesting' सुविधा स्थापन करपाचो प्रस्ताव आसा आनी तेखातीर 20.62 कोटी रुपयांची तजवीज आसा.

सभापती महाशय , राज्यांतल्या advanced नुस्तें पालन तंत्रज्ञानाक चालना दिवपाक आनी निर्यात करपा सारख्या नुस्त्यांचें breeding करपा खातीर तशेंच Blue अर्थवेवस्थेक चालना दिवपा खातीर, बाणावले हांगच्या ब्रेकीश वॉटर हॅचरीची नवी सुदारणा आनी पुनर्विकास करतले तशेच seaweed farming हाकाय आमी चालना दितले.

## HANDICRAFT TEXTILE AND COIR

सभापती महोदय, ह्या खात्याक 32 कोटी रुपयांची तजवीज आसा. तातूंतले 28.50 कोटी महसूल आनी 3.50 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय , "स्वावलंबन येवजणेंत" पॉवरलूम केंद्रां खातीर अतिरिक्त warpers आनी लूम अटेंडंटांची सेवा घेवपा खातीर योग्य रितीन दुरुस्ती करतले. उगवें, साळावतींली कुणबी क्राफ्ट व्हिलेज पुराय जावपाचे वाटेर आसा आनी अंदू वर्सा ती सुरू जातली. निर्मल नगर, शेल्डें हांगसरलें **"डिझायन आनी क्राफ्ट स्कूल"** मे 2026 मेरेन सुरू जातलें. तशेंच गोंयभर प्रशिक्षण केंद्रांचें नवनिर्माण करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाचे खातीर २ कोटी रुपयांची तरतूद आसा.

सभापती महाशय, आमच्या राज्यांतल्या कुणबी समाजाच्या गिरेस्त दायजाक चालना दिवपाची आनी तिगोवन दवरपाची म्हज्या सरकाराची खर वचनबद्धतायेचो हांव पुनरुच्चार करतां.

## ANTYODAY, GRAMODAY AND SARVODAY SECTOR

सभापती महोदय, म्हजें सरकार गृह आधार, दयानंद समाजिक सुरक्षा आनी लाडली लक्ष्मी ह्या येवजण्यां वरवीं राज्यांतल्या सुमार 40% लोकांक सुनिश्चित समाजीक सुरक्षा दिता.

## SOCIAL WELFARE

सभापती महोदय, समाज कल्याण खात्याक दिल्लें वाटप 554 कोटी रुपया आसा, तातूंतले 539 कोटी महसूलाखातीर जाल्यार 15 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महोदय, **"गोमंत भूषण पुरस्कार येवजण"** अंतर्गत राज्यांतल्या समाजीक वावर, वैजकी वा हेर खंयच्याय मळार विशिश्ट आनी असामान्य कामगिरी केल्ल्या गोंयकारांक 1 लाख रुपया रोख पुरस्कार दितले.

सभापती महाशय , पर्वरी हांगा आंबेडकर भवन बांदपाचें काम ह्या वर्सा सावन सुरू जातलें.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान 'CM Scholarship Portal' वरवीं शिश्यवृत्ती येवजण्यो डिजिटल करपाचे दिकेन म्हत्वाचो उपक्रम केला. समाज कल्याण खात्याच्यो सगळ्यो 18 शिश्यवृत्ती येवजण्यो विद्यार्थ्यां खातीर ऑनलायन मोडांत प्रक्रिया करपा खातीर उपलब्ध आसात. ह्या वर्सा सावन Senior Citizen Identity Cards दिवपाची प्रक्रिया डिजिटल करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, Palliative Care Centre हांका आदार दिवपाच्या हेतान **"Financial Assistance to Registered Organizations for Palliative Care"** ही येवजण ह्या वर्साय चालू उरतली. हे येवजणे खातीर 1 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, दयानंद समाजीक सुरक्षा येवजण ही म्हज्या सरकाराची एक मुखेल येवजण आसा. 25 वर्सा पयलीं सर्गेस्त मनोहर भाई पर्रीकर हाणी चालू केल्ली ही योजना गोंयच्या गरजू वृद्ध, दिव्यांग आनी भगिनीक आधार दिता. वेळा वांगडा वाडत्या म्हारगायेक लागून वाडीव समाजीक सुरक्षा दिवपा खातीर हांव 'DSSS' येवजणेचो नियाळ घेउन ह्या आर्थिक वर्सा सावन मेळपी लाभ निश्चितपणान वाडयतलो हाजी हमी दिता. हे येवजणे खातीर 479 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, राज्यांतल्या ओबीसी समाजा खातीर कल्याणकारी येवजण्यो पुराय करपा खातीर 5 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. तशेंच खाजेकार, भजेकार, फुलकार, कुंभार आदी पारंपारीक वेवसायांत वांटो घेवपी लोकांक one time special आर्थिक मजत दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, म्हज्या सरकारान सद्याच्या घरांची दुरुस्ती करपा खातीर "अटल असरा येवजण" खाला 2025-26 ह्या अर्थीक वर्सा 1,650 अर्ज मंजूर करून लावार्थ्यांक वेळार आदार दिला. ह्या वर्सा हे येवजणे खातीर 15 कोटी रुपयांची तजवीज आसा.

सभापती महोदय, नागरिकां खातीर व्यसनमुक्त कार्यावळी घडोवन हाडपा खातीर तशेंच नशा मुक्त कार्यावळीक बळगे दिवपी संस्थांक आर्थिक मदद करपाची घोषणा हांव करता.

सभापती महाशय , जाण्ट्यांची जतनाय घेवपा खातीर प्रोवेदोरिया खाला आशिल्ली सगळी मुळावी बांदावळ सुदारतले आनी जाण्ट्यांची जतनाय घेवपा खातीर वेगवेगळ्या तालुक्यांनी आनीक चड वृद्धाश्रम स्थापन करतले.

<u>**Empowerment of Person With Disabilities**</u>

सभापती महाशय , DePWD खात्याक 30 कोटी रुपयांची तरतूद आसा, तातूंतले 28.50 कोटी महसूलाक आनी 1.50 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

GMC हांगासरल्या Pradhan Mantri Divyasha Kendra खाला 330 लावार्थ्यांक 601 assistive उपकरणा free of cost दिवून support केला.

The total value of assistance provided amounts to ₹48.05 lakh, improving accessibility and quality of life for persons with disabilities in the State.

Intellectual Disability आशिल्ल्या व्यक्तींक सशक्त करपाक म्हजें सरकार कटिबद्ध आसा. तीन वर्सांचें structured प्रशिक्षण पुराय जातकच व्यक्तींक 10th class समान ग्रेड दिवपा खातीर **"Equivalence Certificate for Grade 10 for Person with Intellectual Disabilities"** नांवाची नवी येवजण सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां आनी ताका लागून फुडारांत कुशळटाय विकास आनी रोजगारा खातीर मार्ग उक्ते जातले.

सभापती महाशय, 18 वर्सां वयर पिरायेच्या अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर **"दिव्यांग कौशल्य योजना"** नांवाची नवी येवजण सुरू जातली जांकां वर्कशॉपांत प्रवेश दितले आनी तांकां कौशल्य आदारीत प्रशिक्षण दितले जाका लागून ते रोजगारा वरवीं स्वतंत्र जिवीत जगपाक शकतले.

सभापती महाशय, दिव्यांग व्यक्तींक पुराय स्वायत्तता परतून मेळोवपा खातीर उच्च कार्यक्षम मॉड्यूलर Orthotic आनी prosthetics आंग दिवपा खातीर **'मुख्यमंत्री समत्व येवजण'** नांवाची नवी येवजण सुरू जातली. येवजणे खाला मॉड्यूलर artificial अवयव दिवपाखातीर 30 हजार ते 1 लाख रुपया पर्यंत खर्च करून दितले.

'International Purple Fest, 2026' आयोजीत करपाचो प्रस्तांव हांव मांडटा. येवपी वर्सा दिव्यांग भुरग्यां खातीर ngo च्या सहाय्यान **'दिव्यांग घर'** योजना करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटा.

सभापती महाशय, अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर केंद्र सरकाराच्या पालवान ₹12 कोटी खर्च करून राज्यांतल्या नामनेच्या सुवातेर Barrier-free environment तयार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. तशेंच अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या पुनर्वसन आनी खाशेल्या शिक्षणाक संसाधन केंद्र म्हणून काम करपाच्या उद्देशान नॅशनल इन्स्टिट्यूट फॉर स्पीच अँड हियरिंग

डिसेबिलिटीज, मुंबयच्या सहकार्यान 'Composite Regional Center' स्थापन करपाक मान्यताय मेळ्ळ्या अशें सभागृहाक कळोवंक म्हाका खोस जाता.

## TRIBAL WELFARE DEPARTMENT

सभापती महोदय, आदिवासी कल्याण खात्याक 178 कोटी रुपयांची मंजुरी आसा, तातूंतले 93 कोटी रुपया महसूलाखातीर जाल्यार 85 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय , 'मुख्यमंत्री जनजातिय माझे घर येवजण' सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां जाचेरवरीं अनुसूचित समाजांतल्या गरजेवंत लोकांक 'माझे घर येवजणे' खाला थारायिल्ल्या दरान राबितो घर खरेदी करप आनी राहत्या घराचें नियमितीकरण करपाचो अधिकार मेळटलो. हे येवजणेखातीर अर्थसंकल्पांत 1 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, नव्यान स्थापन जाल्ल्या कुशावती जिल्ह्यांत गोंय राज्य अनुसुचीत आदिवासी वित्त आनी विकास म्हामंडळाचें नवें शाखा कार्यालय स्थापन जातलें. म्हामंडळ हांच्या तिनूय येवजण्यांची म्हणल्यार आश्रय आधार येवजण, अल्पकाळ रीण येवजण आनी स्वंयरोजगार येवजण ह्या येवजण्यांची प्रक्रिया सोपी करपा खातीर आनी रिणाची मर्यादा वाडयतले, जाचे खातीर अर्थसंकल्पीय तरतूद 14.8 कोटी रुपया केल्यात.

सभापती महाशय, 35% परस चड आदिवासी लोकसंख्या आशिल्ल्या गांवांनी समुदाय पातळेचेर सेवा आनी संसाधन केंद्रां स्थापन करपा खातीर अशा सगळ्या गांवांनी **'धर्ती आबा सुविधा केंद्र'** स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाका लागून सुलभताय सुदारू येता, समावेशक चालना मेळटली आनी तक्रार निवारणाक सुविधा मेळटली.

सभापती महोदय, सद्याचे 'अटल आसरा येवजणेंत' दुरुस्ती करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. हे येवजणेखाला घर दुरुस्ती खातीर जे 1.50 लाख रुपया दितात ते वाडोवन ३ लाख रुपया आनी बांदकाम/पुनर्बांदणी खातीर मेळपी रूपया 3 लाख वाडोवन ते रु. 5 लाख करपाचें थारायला आनी हेखातीर 15 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, PG-NEET आनी GATE परिक्षेची तयारी करपी विद्यार्थ्यां खातीर 'भगवान बिरसा मुंडा लक्ष सिध्दी येवजणे'ची व्याप्ती वाडोवन तातूंत दुरुस्ती करपाचोय प्रस्ताव हांव मांडटां आनी हेखातीर 4.50 कोटी रुपयांची तरतूद अर्थसंकल्पांत केल्या.

सभापती महाशय, केंद्र सरकाराच्या आदारान फोंडाच्या फार्मागुडी हांगा चालू आशिल्ल्या 30 कोटी रुपयांच्या 'Tribal Freedom Fighters Museum' ह्या प्रकल्पाचे काम मार्च 2027 मेरेन पुराय जातलें.

सभापती महाशय, करमळेच्या मसणभुंयेचें नूतनीकरण आनी पुनर्बांदणी, सत्तरींतल्या भिरोंडा हांगा कम्युनिटी हॉलाची दुरुस्ती आनी कुडका बांबोळे हांगा कम्युनिटी हॉल, लायब्ररी आनी जिम बांदपाचें काम ह्या अर्थीक वर्सा सुरू जातलें.

आमोणा पैंगीणच्या आश्रम शाळेंत 16.47 कोटी रुपया खर्च करून हॉस्टेल ब्लॉक बांदपाखातीर संविधानाच्या कलम 275 (1) खाला भारत सरकारा कडल्यान मजत घेतले.

## WOMEN AND CHILD DEVELOPMENT

सभापती महोदय, Women and Child Development खात्याक 544 कोटी रुपयांची तजवीज आसा.

सभापती महाशय, नारी सशक्तीकरण हो 'विकसित गोवा 2037' चो एक महत्वाचो विषय आसा. महिलांक सशक्त करपा खातीर गृह आधार येवजण सर्गेस्त मनोहर भाई पर्रीकर हाणी चालू केल्ली. अर्थवेवस्थेन सक्रीय योगदान दिवपी महिलांक सशक्त करपा खातीर गृह आधार येवजण सुधारित करून म्हयन्याक मेळपी मानधन ह्या वर्सासावन वाडोवपाची हमी हांव म्हज्या भैणींक दिता. हे खातीर गृह आधार येवजणे खाला 330 कोटी रुपयांची तजवीज केल्यात.

सभापती महाशय, लाडली लक्ष्मी येवजण चालीक लावपा खातीर 40 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. येवजण सुटसुटीत करून apply करता तांका आपल्या लग्नाच्या पयलीं आर्थिक सहाय्य दिवपाचे यत्न करतले.

सभापती महाशय, कुडचडें, तिळामळ, शेल्डें, रावण केरी, सत्तरी ह्या वाठारांनी आंगणवाडी केंद्रां ह्या वर्सा सुरू जातलीं. दर्जेदार पूरक पोशण आनी भुरगेपणाची जतनाय आनी शिक्षण दिवपा खातीर राज्यभरांतल्या वेगवेगळ्या आंगणवाड्यांची सुदारणा टप्प्याटप्प्यान हातांत घेतले. तशेंच, भारत सरकाराच्या 'धरती आबा' येवजणे खाला केंद्र सरकाराच्या पालवान राज्यांतल्या कांय आंगणवाड्यांचीय उदरगत करतले.

सभापती महोदय, आंगणवाडी worker हांचे मानधन 5 हजार रुपयानी आनी आंगणवाडी helper हांचे मानधन 2.5 हजार रुपयानी अंदू वर्सासावन वाडतले.

## CIVIL SUPPLIES

सभापती महोदय, नागरी पुरवण खात्याक 85 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महोदय, अपंगत्व आशिल्ले व्यक्ती, लोकोमोटर अपंगत्व आशिल्ले वा दीर्घकालीन दुयेंस आशिल्ले लावार्थी आनी 75 वर्सां वयर पिरायेचे ज्येश्ठ नागरिक जांकां Fair Price दुकानांतल्यान अन्नधान्य एकठांय करपाक अडचणी येतात, अशा लावार्थ्यांक म्हजें सरकार रेशन कोटा घरगुती वितरण सुरू करपाचे प्रक्रियेंत आसा.

सभापती महाशय , राज्यांतल्या Fair Price दुकानांची कार्यक्षमताय आनी अर्थीक बाजू घटमूट करपा खातीर, हांव स्वयंपूर्ण मॉडेलाचे धर्तीचेर FPS दुकानांची कार्यक्षमताय वाडोवपाच्या हेतान **'मुख्यमंत्री FPS सहाय येवजण'** तयार करपाचो प्रस्ताव मांडटां जाचे अंतर्गत दुकानदारांक आर्थिक मदत दिवपाची तरतूद आसतली.

## RURAL DEVELOPMENT

सभापती महोदय, ग्रामीण उदरगत खात्याक 94 कोटी रुपया वाटप आसा.

सभापती महोदय, National Rural Livelihood Mission खाला म्हजें सरकार 1 वर्साच्या काळांत 11 हजार "लखपती दीदी" तयार करपाचें महत्वाकांक्षी लक्ष्य साध्य करतलें, जें ग्रामीण बायलांक उण्यांत उणें एक लाख रुपया घरगुती वर्सुकी उत्पन्न मेळोवपाक सशक्त करतलें आनी राज्यभरांत ग्रामीण उदरनिर्वाह घटमूट करतलें.

सभापती महोदय, अर्थीक समावेश आनीक खोलायेन आनी उद्देग आदारीत उदरनिर्वाहाक चालना दिवपाक, Self Help गटांक ₹4.51 कोटी इतलो समुदाय गुंतवणूक निधी दितले, जाका लागून तांकां अर्थीक कार्यावळींचो विस्तार करपाक, पतपुरवठ्याचो वापर सुदारपाक आनी उत्पन्न मेळोवपाच्यो संदी वाडोवपाक मेळटल्यो. तशेंच 50 कोटी रकमेचें बँक रिण SHG हांका disburse करतले.

सभापती महोदय, स्वयंसहाय्य गटांनी तयार केल्ल्या गिफ्ट हॅम्पर, हॅंडलूम आनी हेर अशा वस्तूंची खरेदी करपा खातीर Preferential Procurement Policy सुरू करतले. अशे तरेन थळाव्या उत्पादनांक बाजारांत प्रवेश मेळोवपाक प्रोत्साहन मेळटलें आनी व्हॉकल फॉर लोकलच्या भावनाक चालना मेळटली.

सभापती महोदय, Startup Village Entrepreneurship Programme खाला म्हजें सरकार धारबांदोरा, सत्तरी आनी मोर्मुगांव हांगा एक आनी सांगे आनी सालसेत हांगा एक, अशें दोन नव्या SVEP प्रकल्प वाडोवपाचो प्रस्ताव मांडटा. ह्या विस्तारा वरवीं, 4,800 बायलां फुडारपणा खाला उद्देगांक चार वर्सांच्या काळांत तांकां 1 लाख मेरेन कम्युनिटी एंटरप्रायझ फंड मजत दिवन आदार दितले, जाका लागून तांकां कार्यक्षम सूक्ष्म उद्देग स्थापन आनी scale करपाक मेळटले.

फुडें एक अतिरिक्त ब्लॉक SVEP खाला हाडटले, जाका लागून SVEP प्रकल्पा खाला पुराय गोंय राज्याचो पुराय आस्पाव जातलो. हाचे वांगडा गोंय हें देशांतलें एकमेव राज्य जातलें, जंय सगळे  तालुके SVEP खाला आस्पावतले आनी बायलांच्या फुडारपणा खाला ग्रामीण उद्देजकतेंत राष्ट्रीय मानक थारायतले.

सभापती महोदय, पर्यटन अर्थवेवस्थे वांगडा उदरनिर्वाह एकठांय करपाच्या हेतान उत्तर गोंयांत पेडणे आनी बार्देश हांचो आस्पाव आशिल्ले Tourism Based Livelihood क्लस्टर आनी काणकोण आनी सांगे हांचो आस्पाव आशिल्ले Multicraft Tourism क्लस्टर विकसीत करून पर्यटन आदारीत उदरनिर्वाह क्लस्टर पद्दत आपणायतले.  हे खातीर 5 कोटी रुपयांची वाटप केल्या.

सभापती महोदय, आजीविका ग्रामीण एक्सप्रेस येवजणे खाला म्हजें सरकार ग्रामीण येरादारी सेवा चलोवपा खातीर Self Help गटांक 12 प्रवासी वा माल वाहनां दिवपाचो प्रस्ताव मांडटा, जाका लागून निमाण्या मैलाची जोडणी सुदारतली आनी तेच बरोबर बायलांच्या सामुहीकांक sustainable उदरनिर्वाहाची संद निर्माण जातली.

सभापती महोदय, महिला किसान सशक्तकरण परियोजना खाला, माझ्या सरकारान धारबांदोडा सत्तरी आनी फोंडा हांगा तीन एकत्रीत शेती क्लस्टर तयार करपाचो, 19 नवे उत्पादक गट तयार करपाचो, 52 नवे वैयक्तीक ब्रँड सुरू करपाचो आनी दोन fulfilment केंद्रां स्थापन करपाचो प्रस्ताव मांडला, जाचे खातीर 80.03 लाखांचें वाटप केलां.

सभापती महाशय, गांवगिऱ्या घरांची गरज भागोवपा खातीर म्हजें सरकार ह्या वर्सा खातीर 2 कोटी खर्च प्रस्तावीत करता, जाका लागून प्रधानमंत्री आवास योजना ग्रामीण सयत गांवगिऱ्या कुटुंबांक सुरक्षीत, गरिबी आनी कायम स्वरुपी घरां खातीर आदार चालूच उरतलो.

सभापती महोदय, MNREGA कडेन एकठांय येवन चालीक लायिल्लें विकसित भारत – रोजगर आनी अजीविका मिशन (ग्रामीन) राज्यांत ग्रामीण रोजगार सुरक्षा आनी उदरनिर्वाहाक आदार सुनिश्चीत करपा खातीर एक मुखेल साधन म्हणून चालू आसा.  पंचायती वरवीं राज्यांत ही येवजण चालीक लायतली. गांव पातळेचेर नियोजन, कार्यान्वयनांत पारदर्शकता आनी sustainable आनी उत्पादक community assets तयार करपाचेर चड लक्ष केंद्रीत करतले. ह्या वर्सा खातीर ह्या कार्यावळी खाला 1 लाख mandays रोजगार निर्मिती करपाचें लक्ष्य आसतलें आनी येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर 13.70 कोटी रक्कम थारायल्या.

सभापती महोदय, ‘दीनदयाल उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य येवजण 2.0’ सुरू करपी गोंय हें देशांतलें पयलें राज्य हें सांगपाक खोस जाता. ह्या कार्यावळी खाला, National Skill Qualification Framework (NSQF) मानांकन प्रमाण खर जुळोवणी करून 1500 ग्रामीण तरणाट्यांक assured placement सयत कुशळटाय training दितले. पर्यटन, हॉस्पिटॅलिटी, भलायकी जतनाय, logistics आनी IT/ITES अशा मुखेल वाडीच्या क्षेत्रांनी प्रशिक्षण दितात जे सद्याच्या आनी उदयाक येवपी कामगार बाजारांतल्या गरजे प्रमाण प्रासंगिकताय सुनिश्चीत करतात.

म्हजें सरकार बायलां, अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती, अल्पसंख्यांक आनी हेर दुबळ्या गटांचो आस्पाव करपाखातीर येवजणे खाला खासा भर दितलें जी निवासी आनी बिगर निवासी दोनूय प्रशिक्षण दितली, उण्यांत उणी 70% प्लेसमेंट हमी आनी प्लेसमेंट उपरांतचो आदार दिवन टिकावू रोजगार सुनिश्चीत करताली. ही कार्यावळ चालीक लावपा खातीर 9.35 कोटी खर्च केला.

सभापती महोदय, गोंय ग्राम समृद्धी येवजणे खातीर 18 कोटी रुपयाची तरतूद केल्या. खाला Annexure Q त तपशीलवार सांगिल्ले प्रमाण 1.63 कोटी रुपयाचे 14 मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्प अंदूं पुराय जातले.

## Annexure Q

| Sr. No | Name of Work | Constituency | Category | Estimated amount [In Rs. Lakhs] |
|---|---|---|---|---|
| 1 | Development of open space at mini joggers park with sitting benches, swings, high mask lamps alongwith walking track in Sancoale in Mormugao Taluka | Cortalim | Sports infrastructure | 33.17 |
| 2 | Construction of Protection wall near Ramakant Gaude house at Gaalwada Priol in V.P. Veling-Priol-Kuncoliem | Priol | Flood Control | 7.59 |
| 3 | Construction of Steps and Railing at Parwarwada Kone in V.P. Veling-Priol-Kuncoliem | Priol | Rural Connectivity | 4.85 |
| 4 | Construction of Protection wall near Gajanan Naik house at Zariwada in V.P. Veling-Priol–Cuncoliem | Priol | Flood Control | 4.74 |
| 5 | Construction of Protection wall near Ganapat Satarkar house at Zariwada in V.P. Veling-Priol-Cuncoliem | Priol | Flood Control | 6.35 |
| 6 | Construction of Protection wall near Durganand Sanvordekar house at Priolnagar in V.P. Veling-Priol–Cuncoliem | Priol | Flood Control | 3.21 |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 7 | Construction of Protection wall near Virendra Gaude house at Zariwada in V.P. Veling-Priol–Cuncoliem | Priol | Flood Control | 6.42 |
| 8 | Developmental work near Ashwath Narayan Devasthan at Mokhard Shristhal in V.P. Shristhal in Canacona taluka | Canacona | Rural Sanitation | 24.48 |
| 9 | Development of open space bearing sy no: 179/1 at Moddi in V.P. Navelim | Navelim | Land Development | 64.75 |
| 10 | Construction of shed, changing room and toilet in sry no: 238/5-A at Panchame in V.P. Veling-Priol- Cuncoliem | Priol | Community Hall | 7.47 |
| 11 | Erection of retaining wall in Sy. No. 24/4 Dhaktebhat Mandur through DRDA in Tiswadi | St. Andre | Flood Control | 39.97 |
| 12 | Repair, Renovation and construction of upper floor of Mandap in Sy.No. 2/5 in Murda village of Carmibhat Merces | Santa Cruz | Community Hall | 57.79 |
| 13 | To construct a new Panchayat Ghar of village panchayat Sangolda through the Rural Development Agency in Sy. No. 107/3 4,5 and 6 of V.P. Sangolda | Saligao | Panchayat Ghar | 93.39 |
| 14 | Development of the existing crematorium at Badem Assagao in ward No. VI Bardez | Siolim | Crematorium | 29.95 |

सभापती महोदय, गोंय ग्राम समृद्धी येवजणे खाला Annexure-R द्वारा तपशीलवार सांगिल्ले प्रमाण 19.62 कोटी रुपयाचे फुडले मुळावे प्रकल्प ह्या वर्सा हातांत घेतले.

## Annexure R

| Sr. No | Name of Work | Constituency | Category of work | Estimated amount [In Rs. Lakhs] |
|---|---|---|---|---|
| 1 | Construction of protection wall at Kamat wada Volvoi in V.P. Volvoi in Priol Constituency | Priol | Flood Control | 8.28 |
| 2 | Construction of protection wall near Dharwardkar's house at Mangueshi in V.P. Veling -Priol-Cuncoliem | Priol | Flood Control | 21.44 |
| 3 | Reconstruction & beautification of Sabha Mandap at Shree Mahalaxmi Temple at Zuariwada -Tivrem in V.P. Tivrem-Orgao in Priol Constituency | Priol | Community Hall | 69.07 |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 4 | Construction of Sabha Mandap near Sateri temple at Paroda in V.P. Paroda in Cuncolim constituency | Cuncolim | Community Hall | 91.11 |
| 5 | Construction of Open Hall along with stage & dressing room Shree Kalpurush temple Subdolem in survey no: 1/2 of village Subdolem in V.P. Barcem-Quedem in Quepem constituency | Quepem | Community Hall | 94.19 |
| 6 | Beautification of Shigmo Maand at Fondbag near Nilu Bamtu Velip house in Sy.No. 381/4 and 381/7 at Matvem in V.P. Cola in Quepem Constituency | Quepem | Community Hall | 26.29 |
| 7 | Repair & Maintenance of Ganesh Temple & Construction of community hall at Birla, Zuarinagar, in Cortalim Constituency | Cortalim | Community Hall | 34.74 |
| 8 | Construction of Steps and Pathway near house of Shashikant Gaude at Gudgirya in V.P. Veling-Priol-Cuncoliem in Priol constituency | Priol | Rural Connectivity | 20.78 |
| 9 | Construction of stage at Chiplem in Survey No. 1/2 of V.P. Poinguinim in Canacona Taluka | Canacona | Community Hall | 46.79 |
| 10 | Construction of Protection wall near Prasad Naik house at Gaalwada-Mangeshi in V.P. Veling-Priol-Kuncoliem in Priol constituency | Priol | Flood Control | 42.92 |
| 11 | Construction of Protection wall and Road at Old Vaddem in V.P. Vaddem -Curdi in Sanguem | Sanguem | Rural Connectivity | 31.23 |
| 12 | Construction of Shed in Sy.No. 86/3 in Panchame village ward no. 29 V.P Curti Khandepar in Ponda | Ponda | Community Hall | 19.64 |
| 13 | Construction of Retaining all (2nd phase )and fencing for playground at Sulebag Kakumoddi in survey no. 450/1 in V.P. Xeldem in Churchorem Constituency | Churchorem | Flood Control | 31.01 |
| 14 | Construction of Community hall at Ambeudak in V.P. Sanvordem in Sanguem Constituency | Sanguem | Community Hall | 30.85 |
| 15 | Renovation and Beautification of existing DRDA Hall at Udalshye in V.P. Sancordem in Sanvordem Constituency | Sanvordem | Community Hall | 30.99 |
| 16 | Beautification in Survey No. 18/1 near Our Lady of Immaculate Conception Chapel at Curpem in ward No. V in Curdi- Sanguem | Sanguem | Land Development | 31.24 |
| 17 | Rubble soiling and black topping of Road near house of Charudutta Fati Naik at Amshewada in V.P. Veling- Priol-Cuncoliem in Priol Constituency | Priol | Rural Connectivity | 31.03 |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 18 | Construction of Protection wall near house of Kanta Gaude in V.P. Veling-Priol-Kuncoliem in Priol constituency | Priol | Flood Control | 4.82 |
| 19 | Repair & Renovation of existing Crematorium at Village Rumbrem Guddemol in V.P. Sanvordem in Sanvordem constituency | Sanvordem | Crematorium | 40.77 |
| 20 | Construction of Multipurpose Community Hall at Kumbhagal V.P. Poinguinim In Canacona Constituency | Canacona | Community Hall | 72.09 |
| 21 | Revised " Construction of Gaonkar Garvamath and Beautification in Survey no. 95/31 in V.P. Morphila in Quepem Constituency | Quepem | Land Development | 28.63 |
| 22 | Revised " Construction of retaining wall at Matvemol near Raghunath Panglo Velip house in Survey No. 387/3 in V.P. Cola in Quepem ConstituencyGaonkar Garvamath and Beautification in Survey no. 95/31 in V.P. Morphila in Quepem Constituency | Quepem | Flood Control | 9.87 |
| 23 | Construction of Shigmo Maand and shed at Subdolem near Ulhas C. Velip house in V.P. Barcem-Quedem in Quepem Constituency | Quepem | Community Hall | 17.58 |
| 24 | Construction of community hall at Chapoli under Sy. No.61/1 in V.P Shristhal in Canacona taluka | Canacona | Community Hall | 74.50 |
| 25 | Construction of Crematorium in Sy No. 82/3 in ward no.1 at Galashire in V.P. Queula in Marcaim Constituency. | Marcaim | Crematorium | 30.97 |
| 26 | Repair and construction of footsteps at Salgini in V.P. Netravalim in Sanguem Constituency | Sanguem | Rural Connectivity | 25.92 |
| 27 | Repair and renovation of Su-Health Centre V.P. Caurem-Pirla in SanguemConstituency | Sanguem | Health Infrastructure | 20.75 |
| 28 | Repair & Renovation of Anganwadi in V.P. Caurem -Pirla in Sanvordem constituency | Sanguem | Education Infrastructure | 18.67 |
| 29 | Beautification of Open space and surroundings near St. Rock Church cemetery in V.P. Velim (SAGY) | Velim | Graveyard | 48.10 |
| 30 | Providing and laying of pavers & construction of shed and compound wall near Pascobhat chapel in ward no II in V.P. Velim in Velim Constituency | Velim | Land Development | 20.30 |
| 31 | Construction of Community Hall at Mahal Baddem in V.P. Cotigao Canacona Constituency | Canacona | Community Hall | 79.19 |
| 32 | Revised "stage and Developmental work in survey no. 39/13 of village Canacona near Shree Nirakal Temple at Khalwadem in V.P. Shristhal in Canacona | Canacona | Community Hall | 81.62 |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | Constituency | | | |
| 33 | Beautification of Crematorium with laying of pavers, store room (shed) & retaining wall in Sy No. 79/1 in ward no.1 at Galashire in V.P. Queula in Marcaim Constituency. | Marcaim | Crematorium | 30.97 |
| 34 | Balance work of Community hall constructed by RDA in sy. No 214/0 in V. P. Shiroda | Shiroda | Community Hall | 69.07 |
| 35 | Construction of Sabha Mandap Near Mahamaya, Bhatwada Devasthan in V.P. Shiroda. | Shiroda | Community Hall | 99.43 |
| 36 | Construction of new retaining wall in survey no: 392/22 0f Chinchinim village of Azmaddi in ward no: 01 in V.P. Chinchinim in Velim constituency | Velim | Community Hall | 20.44 |
| 37 | Construction of shed, changing room & toilet in survey no: 238/5-A at Panchame in V.P. Veling-Priol-Cuncoliem in Priol constituency [Balance work] | Priol | Community Hall | 63.24 |
| 38 | Electrification & other amenities for the community hall constructed under RDA at Bandoli in V.P. Kirlapal-Dabal in Sanvordem constituency | Sanvordem | Community Hall | 31.34 |
| 39 | Construction of retaining wall, compound wall & shed at Patem and near temple in V.P. Bhati in Sanguem constituency | Sanguem | Flood Control | 56.99 |
| 40 | Electrification & other amenities for the community hall constructed under RDA at Dharge in V.P. Sacorda in Sanvordem constituency | Sanvordem | Community Hall | 61.83 |
| 41 | Electrification & other amenities for the community hall constructed under RDA at Talsai in V.P. Dharbandora in Sanvordem constituency | Sanvordem | Community Hall | 61.90 |
| 42 | Construction of Shed in V.P. Chinchinim in Velim constituency | Velim | Community Hall | 10.49 |
| 43 | Construction of Crematorium at Durbhat in ward no: 7 in V.P. Durbhat in Marcaim constituency | Marcaim | Crematorium | 53.10 |
| 44 | Construction of Community hall at Cordem in V.P. Balli-Adnem in Quepem constituency | Quepem | Community Hall | 27.45 |
| 45 | Construction of crematorium at Gaudsai Sancordem in survey no: 53/1 in Sancordem Revenue village in V.P. Sancordem in Sanvordem constituency | Sanvordem | Crematorium | 43.82 |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 46 | Repairs to crematorium and construction of compound wall to crematorium in survey no: 113/1 of Shigao village at Velipwada Shigao in ward no: 03 in V.P. Collem-Shigao in Sanvordem constituency | Sanvordem | Crematorium | 43.62 |
| 47 | Repair of existing crematorium in ward no: 5 at Kaaswada in V.P. Wadi-Talaulim in Marcaim constituency | Marcaim | Crematorium | 29.51 |
| 48 | Construction of stage, changing room & toilet in survey no: 98/1 of Shigao village near GPS Vakikulan in V.P. Collem-Shigao in Sanvordem constituency | Sanvordem | Community Hall | 23.93 |
| 49 | Reconstruction of community hall at Dhangarwada Malpan in V.P. Cotorem Sattari Constituency. | Sattari | Community hall | 24.71 |
| 50 | Renovation of crematorium "Muktidham" at Madel Tivim, Bardez-Goa & fixing of pavers near Rashtroli Devastan Saurakvaddo Tivim,Bardez Constituency. | Bardez | Crematorium | |

## CO-OPERATION

सभापती महोदय, सहकारी संस्थां मदीं सहकार्य हें गोंयांतल्या सहकारी क्षेत्राचें मिशन आसा आनी सहकार से समृद्धी हें ध्येय आसतलें. सहकार खात्याक 40 कोटी रुपयांची तरतूद आसा, तातूंतले महसूलाक 38 कोटी आनी 2 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय , सहकारी क्षेत्रांत मनीस संसाधन क्षमता आनी संस्थांचें गिन्यान घटमूट करपा खातीर वर्ग, वाचनालय, संगणक प्रयोगशाळा आनी प्रशासकीय मुळावी बांदावळ अशो सुविधा आशिल्लें 'Cooperative Training Center' स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. सहकारी क्षेत्रांत वेवसायीकपण हाडपा खातीर राष्ट्रीय पांवड्यावेले संस्थेक मान्यताय दिवन सहकारी प्रशिक्षण संस्था स्थापन करपाचो प्रस्ताव म्हजें सरकार करता.

सभापती महाशय, गोंयचो वेव्हार पुराय E-PACS कार्यकारी दर्जाचो जावचो म्हूण शिल्लक 28 प्राथमीक शेतकी पत सोसायटी computerization करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. सहकारी मळार डिजिटल प्लॅटफॉर्मांची वाडत वचपी भुमिका वळखून, खास करून तळागाळांतल्या पांवड्यार, ऑनलायन बहुउद्देशीय वेवसायीक कार्यावळी हातांत घेवपा खातीर PACS सोसायटींक इंटरनॅट जोडणी दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, office-cum-godown इमारतींचें बांदकाम, पुरायपणान बांदून तयार आशिल्ली सुवात खरेदी आनी सहकारी जाग्याचो विस्तार, दुरुस्ती वा नवनिर्माणा खातीर सद्याची loan-cum-subsidy येवजण 15% रिणाच्या रुपांत आनी पीडब्ल्यूडीन मान्य केल्ल्या खर्चाच्या 85% अनुदानाच्या रुपांत 1 कोटी रुपयाचे मर्यादेमेरेन मजत दिवन सुटसुटीत करतले. हाचे वांगडाच स्कुटर, पिकअप, मिनी टेम्पो, सामान रिक्शा अशीं येरादारी वाहनां खरेदी करपा खातीर सहकारी संस्थांक अर्थीक मजत दिवपाची येवजणय आदार दिवपा खातीर नवीनीकृत करतले.

सभापती महोदय, गोंय राज्यांत रोजगार, उद्देजकता आनी मूल्यवर्धित सेवा हांकां प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान निर्यात प्रसार, टॅक्सी सेवा, सेंद्रीय शेती, नवे मिठागर पुनरुज्जीवन आनी निर्मिती,

बायलां आनी तरणाटे सहकारी संस्था तयार करप अशा क्षेत्रांनी मुखेल सहकारी फुडारपणाखाला उपक्रम सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय, म्हजें सरकार गोंयच्या लोकांच्या कल्याणा खातीर कटिबद्ध आसा. 40 वर्सां परस चड काळ गोंयचे जायते नागरिक राज्यांतल्या वेगवेगळ्या इमारतींनी अपार्टमेंट/फ्लॅटांनी रावतात. उल्लेख केल्ल्या अपार्टमेंटाची खरेदी करपा खातीर पुराय रक्कम नागरिकांनी दिल्या तरी नागरिक, builder आनी जमनीचो मालक हांचे मदीं फकत करार जाला. देखून नागरिकांक तांच्या मालमत्तेचेर हक्क मेळूंक ना वा मालमत्तेचेर हक्क दवरपाखातीर सोसायटी स्थापन जावंक नात. ह्या नागरिकांक दिलासो दिवपा खातीर हांव अशा अपार्टमेंट आनी हाउसिंग सोसायटीं खातीर मालमत्तेचेर मालकी हक्क आनी deemed conveyance चालीक लावपाची **'म्हजो फ्लॅट'** संकल्पना सुरू करतां. हाका लागून नागरिकांक निर्भयपणान स्वताच्या अपार्टमेंटांत रावपाक मेळटलें.

सहकारी संस्थां संबंदीत वाद बेगीन आनी सोंपेंपणान सोडोवपाची खात्री करपा खातीर एक आगळीच **"सहकारीता लोकपाल"** संस्थेची संकल्पना सुरू करपाक म्हज्या सरकाराक खोस जाता. तेचबरोबर, सहकारी संस्थांच्या विकसीत क्षेत्रांत समान गती मेळोवपा खातीर, राज्यांतल्या रहिवाशांचें हित, रियल इस्टेट उद्देग तशेंच जमीन आनी पर्यावरणाची राखण करपा खातीर, राज्यांतल्या सहकारी संस्थांचो "Redevelopment" ही संकल्पना सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## HOUSING

सभापती महोदय, हौसिंग खात्याक 10 कोटी रुपया वाटप आसा.

सभापती महोदय, परवडपी घरां म्हज्या सरकाराचें मुखेल प्राधान्य उरतलें जें स्वयंपूर्ण गोंयचेंय **'Shelter for all'** एक उद्दिश्ट आसा. मध्यमवर्गा खातीर परवडपी घरां खातीर **'मुख्यमंत्री आवास येवजण'** ही येवजण गोंय हावसिंग मंडळा वरवीं चालीक लायता जी पात्र नागरिकांक परवडपी फ्लॅट मेळयटली.

तशेंच सरकारी कर्मचाऱ्यां खातीर, GHRDC कर्मचाऱ्यां खातीर आनी समाजाच्या ईडब्ल्यूएस विभागांतल्या घटकांखातीर House Building Loan येवजण चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जातूंत रिणाचेर व्याज सवलत ह्या लावार्थ्यांक दितले.

## LAND REVENUE SECTOR
## REVENUE

सभापती महोदय, महसूल खात्याक दिल्लें वाटप 26 कोटी आसा.

सभापती महोदय, दरेका गोंयकाराक कायदेशीर मान्यताय मेळिल्ल्या घराचे हक्क मेळोवन दिवपाची वचनबद्धताय म्हजें सरकार जाहीर करता. 'म्हजे घर येवजण' ह्या म्हत्वाच्या येवजणे वरवीं, स्वताच्या मालकीच्या, सरकारी आनी कोमुनिदादीच्या जमनीचेर बांदिल्लीं घरां नियमित करपा खातीर आमी 11 गुंतागुंतीचे कायदेशीर तरतुदी सोंपे करून एकूच compassionate आनी समावेशक कायदो केला. ह्या म्हत्वाच्या सुदारणेंतल्यान हजारांनी कुटुंबांनी आमच्या राज्यांतल्या सुमार अर्द्या लोकसंख्येक घरां सुरक्षीत करपाच्या ध्येयान मालकी हक्का खातीर अर्ज केल्यात. नागरिकांक खात्री हक्क दिवन आमी फकत दशकां पयली आशिल्ली

कायदेशीर अनिश्चितताय सोंपयना तर आमच्या लोकांक credit मेळोवपाक आनी आत्मविस्वासान तांच्या फुडाराची येवजण करपाक सशक्त करतात.

सभापती महोदय, अंदूं **म्हजे घर** येवजणे खाला मेळिल्ले अर्ज बेगोबेग चालीक लावपा खातीर म्हजें सरकार सगल्या 191 पंचायतींनी आनी 14 नगरपालिकानी राज्यव्यापी कार्यावळी आनी शिबिरां घडोवन हाडटलें. म्हज्या सरकारान म्हजे घर येवजणे खाला rehabilitate केल्ल्या landslide victims आनी हेर बाधितांचे मालकी हक्क Goa Rehabilitation Board खाला हस्तांतरीत करपाचो निर्णय घेतला जाचो राज्यांतल्या 357 कुटुंबांक फायदो जातलो.

राज्यांतल्या कुमेरी जमनीचो बरोच तेंप प्रलंबीत आशिल्लो प्रस्न डिसेंबर 2026 मेरेन सोडोवपाचोय हेतू आसा.

## COLLECTORATE

सभापती महोदय, तीनूय कलेक्टरेटांक 139 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महाशय , गोंयच्या आदिवासी आनी ग्रामीण नागरिकांची आकांक्षा पुराय करपा खातीर म्हज्या सरकारान फकत भौगोलिक जमनीचो कुडको न्हय तर पर्यावरण, संस्कृती, इतिहास आनी वनस्पती आनी पाळीव प्राणी हांचे नदरेन विविधतायेचो एक हॉटस्पॉट कोरांतून काडून ‘कुशावती’ जिल्ल्याची स्थापना केल्या. भलायकी सेवा सयत प्रशासकीय मुळाव्या साधनसुविधांचो दर्जो वाडोवपा खातीर ह्या कुशावती जिल्ल्याच्या विकासा खातीर, ह्या वित्तीय वर्सा 500 कोटी रूपयांची तजवीज केल्या.

फुडल्या वर्सा आधुनिकीकरण आनी मुळाव्या साधनसुविधांचेर आमचें लक्ष्य आसतलें. फायल वेवस्थापनांत पारदर्शकता सुनिश्चीत करपा खातीर आमी paperless E-office प्रणाली चालीक लायतले आनी Record Digitization सुरू करतले. ते भायर ‘Integrated Command and Control’ केंद्राचें upgradation आनी सगळ्या अधीनस्थ कार्यालयां खातीर ISO प्रमाणपत्र मेळोवपा खातीर कलेक्टरेट वावुरतले, जाका लागून गोंय कार्यक्षम, नागरिक केंद्रीत प्रशासना खातीर एक मापदंड थारतलें.

सभापती महाशय, म्हज्या सरकारान राज्यभर Forest Rights कायद्या खाला केशी वेगान सुटोवपाचो मोख दवरल्या. हीच गती चालू दवरून, 31 डिसेंबर 2026 मेरेन प्रलंबीत आशिल्लीं सगळीं रान हक्क प्रकरणां सोडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## SETTLEMENT AND LAND RECORDS

सभापती महाशय, Settlement and land records खात्याक 39.02 कोटी रुपया मंजूर केल्यात.

महाशय, ह्या खात्या खाला म्हजें सरकार सांगे तालुक्यांत ISLRचें नवें कार्यालय सुरू करपाक सोदता आनी म्हापसा, तिसवाडी आनी धारबांदोडा हांगा अतिरिक्त आयएसएलआर नेमपाक सोदता.

तशेंच म्हज्या सरकारान आधार कार्ड क्रमांक RoR कडेन स्वेच्छा तत्त्वाचेर जोडपाचो, महसूल न्यायालय आनी न्यायीक न्यायालयांचो RoR कडेन जोडपाचो आनी अर्थीक संस्थांचो RoR कडेन जोडपाचो प्रस्ताव मांडला. ISLR केपें, ISLR काणकोण ह्या उप कार्यालयांत मॉडर्न रेकॉर्ड रुमाच्या स्थापनेचें काम पुराय जावपाच्या पांवड्यार आसा आनी आयएसएलआर पेडणें,

म्हापसा आनी धारबांदोडा खातीर नवी उप कार्यालयां बांदपाचो प्रस्ताव म्हजें सरकार दवरता. तशेंच गतीशील, अचूक सर्वेक्षण आनी सगळ्या दायज नोंदींचें स्कॅनिंग आनी कॅटलॉगिंग करपा खातीर आनी भौशीक मळार दवरपा खातीर नवी survey equipments खरेदी करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

ISLR-पेडणें, ISLR-म्हापसा, ISLR-केपें, ISLR-काणकोण आनी ISLR-धारबांदोडा हांगा Digital India Land Records Modernization Programme खाला कॉम्पॅक्टर तशेंच Modern Record Room स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. ग्रामीण उदरगत मंत्रालयाच्या प्रतिश्ठीत नक्षा प्रकल्पा खाला पणजी, मडगांव आनी कुंकळ्ळे ह्या शारी वाठारां वांगडाच ह्या 03 शारांच्या आधिपत्याखाला येवपी शारी वाठारांनी जमनीच्यो नोंदी तयार करपाचें काम हातांत घेतला.

## TOWN AND COUNTRY PLANNING

सभापती महाशय , Town and Planning Country खात्याक 39 कोटी रुपयांची तरतूद आसा.

ह्या वर्सा सावन 'Online Building Plan Approval and Management System' हाजी व्याप्ती वाडोवन व्हडल्या बांदकामाक सुद्दा परवानगी ह्या प्रणाली वरवीं दिवपाची घोषणा हाव करता. राज्यातल्या जनतेच्या तशेच पर्यटन आणि बांधकाम क्षेत्राच्या गरजांची पूर्तता करताना पर्यावरणाचो समतोल राखपी Sustainable पद्धतींचो आमी TCP खात्यांत अवलंब करतले.

## HOME AND LAW & ORDER

सभापती महोदय, गृह विभागाक 35 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या, तातूतले 20 कोटी रुपये महसूल खर्चाखातीर जाल्यार 15 कोटी रुपया भांडवल खर्चाखातीर आसात. Development of Freedom Fighter's Memorial, 2026 वर्सा पुराय जातली आनी ताचेर 19.50 कोटी रुपया खर्च येतलो.

सभापती महाशय, राज्यांत नवे कॅसिनो स्थापन करपाचे शुल्क ह्या वर्सा सावन सद्याच्या शुल्का परस 200% वाडयतले.

## POLICE

सभापती महोदय, पुलीस खात्याक दिल्लें वाटप 1,100 कोटी रुपया, तातूंतले 1,044 कोटी रुपया महसूल बाजून आसा आनी 56 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय, गोंय पुलिसांनी राज्यांतली गुन्यांव आनी कायदो आनी सुवेवस्था नियंत्रणांत दवरल्या. ह्या वर्सा पुलीसांचें सगळ्यांत म्हत्वाचें खाशेलपण म्हळ्यार तपासणी टक्केवारी 87.72% आसा. राज्यांत पुलीस मनीसबळाच्या मंजूर केल्ल्या बळग्यांत सुदारणा करून, तांच्या सद्याच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो सुदारणा करून, प्रगत प्रशिक्षण दिवन, Cyber Crime Unit घटमूट करून आनी Response time सुदारून पुलीस खात्याक बळगें दितले. वाळपई हांगाच्या पुलीस प्रशिक्षण शाळेचीय अंदू सुदारणा जातली.

राज्यांतल्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांत सुरक्षा उपाय घटमूट करपा खातीर ह्या अर्थीक वर्सा फुडले प्रस्ताव सुरू करतले:

| Sr No. | Details of the Proposals |
|---|---|
| 1 | Upgradation of wireless from analog to digital mode in various Police Stations at a cost of Rs. 20 crores. |
| 2 | Integrated Cyber Security Solution including Centre of Excellence in Cyber Security and Malware Analysis laboratory at cost of Rs. 89.45 crores over a period of 5 years. |
| 3 | 222 number of vehicles of multiple types across Units/ Police Stations of Goa Police at cost of Rs.24 crores. |

सभापती महोदय, पुलिस खात्याचे फुडले मुळावे प्रकल्प ह्या वर्सा  पुराय जातले

| Sr No | Name of the Project | Cost (In Crs) |
|---|---|---|
| 1 | Construction of New Coastal Security Police Station at Chapora | 1.63 |
| 2 | Construction of New building for Police station at Quepem | 7.73 |
| 3 | Construction of Annex building to existing Coastal Security Police Station at Tiracol | 0.52 |
| 4 | Construction of new building for Talpona Coastal Security Police Station | 1.72 |
| 5 | Construction of new building for Maina Curtorim Police Station | 15.97 |
| 6 | Construction of new building for Fatorda Police Station | 12.01 |
| 7 | Construction of new building for Sanguem Police Station | 11.17 |
| 8 | Construction of 30 ‘B’ type Quarters at Arlem Fatorda | 9.22 |
| 9 | Construction of high rise building consisting 30 ‘B’ &  32 ‘C’ type Police Quarters at Altinho, Panaji | 30.73 |
| 10 | Construction of 08 ‘B’ and 10 ‘C’ type Quarters at Maina Curtorim Police Station | 14.04 |

सभापती महोदय, पुलिस खात्याचे फुडले मुळावे प्रकल्प ह्या वर्सा हातांत घेतले.

| List of Works to commence in the FY 2026-27 | | |
|---|---|---|
| Sr No | Name of the Project | Cost ( In Crs) |
| 1 | Construction of New Police Headquarters building | 45.62 |
| 2 | Construction of building for Police Out post at Keri | 2.97 |

सभापती महाशय, रस्त्याची सुरक्षीततताय वाडोवपा खातीर, येरादारी पुलीस राज्यांत सुरक्षीत वाहन चलोवपाचें वातावरण दिवपाचे प्रामाणीक यत्न करीत आयल्यात. रस्तो वापरप्यांच्या वेगवेगळ्या विभागांक वेगवेगळीं अंमलबजावणी मोहीम आनी शिक्षणीक कार्यावळी हातांत घेतल्यात जंय 51,983 विद्यार्थ्यांक आनी 41,001 वाहनां चलोवप्यांक येरादारी पुलीसांनी शिक्षण दिलां. राज्यांतल्या रस्त्या सुरक्षेच्या उपायांची awareness करपा खातीर लोकां कडेन ही संलग्नताय चालू दवरपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

तशेंच म्हज्या सरकारान मोटारी चालकांक त्रास मुक्त येरादारी मंजुरी प्रणाली खातीर ‘Quick Pass’ App आनी सायबर आनी अर्थीक फटवणूकेंत प्रोफायलिंग बेगीन करपा खातीर वळख सोदून काडपा खातीर ‘Deep Trace’ अशीं डिजिटल साधनां सुरू केल्यांत, जाका लागून राज्यांत नागरिकांखातीर अनुकूल पुलीसिंग जातलें आनी सायबर गुन्यांव उणे जातले.

म्हज्या सरकारान नवो स्वतंत्र ‘Department of Forensic Science’ तयार करून आनी गोंय राज्यभर गुन्यांव जाल्ल्या सुवातेर भेट दिवपा खातीर 3 मोबायल फॉरेंसिक व्हॅन (एमएफव्ही) दिवन न्यायालयीन फांटो घटमूट केला. Forensic Science खात्या खातीर वट्ट 25 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, आमच्या राज्यांतल्या Forensic मुळाव्या साधनसुविधांचो आधुनीकीकरण आनी न्याय वेवस्था घटमूट करपा खातीर एक व्हड उपक्रम जाहीर करपाक म्हाका खोस जाता. आमच्या अंमलबजावणी एजन्सींक बेगीन, अचूक आनी विस्वासांत घेवपासारको न्याय दिवपाक आदार दिवपा खातीर डिजिटल तंत्रज्ञान आनी Artificial intelligence सज्ज आशिल्लीं अत्याधुनीक Forensic Science Laboratory स्थापन करपाक आमी वचनबद्ध आसात.

## HOME GUARD AND CIVIL DEFENSE

सभापती महाशय, होमगार्ड आनी नागरी संरक्षण खात्याक 44 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. आपत्ती वेळार प्रतिसाद घटमूट करपा खातीर, National Disaster Response Fundच्या Preparedness and Capacity Building अंतर्गत होमगार्ड आनी नागरी संरक्षणाच्या मनीसबळांक प्रशिक्षण दितले.

## JAILS

सभापती महाशय , जेल खात्याक 37.5 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, कैद्यांच्या पुनर्वसनाच्या समस्येचें निराकरण करपाखातीर आनी तांकां कमीत कमी देखरेख आनी सुरक्षेसयत स्वयास्त भोगपाक मेळची ह्या हेतान, गोंय राज्याखातीर १८.९७ कोटी रुपया खर्चून ‘Semi-open prison’ स्थापन करतले.

गोंय राज्यांत गरीब कैद्यांक आदार दिवपाची CSS येवजण चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जी गरीब कैद्यांक तांच्या उदरनिर्वाहाक अर्थीक मजत दितली. नवे 3 criminal laws प्रभावीपणान चालीक लावपाक, कैद्यांक तांचीं कायदेशीर प्रकरणां व्हर्च्युअली सादर करपाक मेळची म्हूण 3.62 कोटी रुपया खर्चून 53 क्युबिकल कार्यान्वीत करतले.

## FIRE AND EMERGENCY SERVICES

सभापती महोदय, उजोपालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा खात्याक 135 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या, तातूतले 108 कोटी रुपया महसूल जाल्यार 27 कोटी रुपया भांडवल खर्चाखातीर आसात.

सभापती महाशय, फोंडा उजो पालोवपी दळाच्या केंद्रांत 2.50 कोटी रुपया खर्च करून 'Administrative cum Training Hall' ब्लॉक बांदपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. फुडें, दिवचलचें उजो पालोवपी दळ आनी वास्को हांगाच्या नव्या उजो पालोवपी दळाच्या इमारतीचें अंदाजे 4.50 कोटी रुपया खर्च करून आधुनीकीकरण करतले. वट्ट 20.85 कोटी रुपया खर्च करून नवी उपकरणां आनी वाहनां खरेदी करून खात्याची उजो पालोवपाची आनी आपत्कालीन प्रतिसाद दिवपाची तांक घटमूट जातली.

अभ्यासक्रम वाडोवन, समावेशकता सुनिश्चीत करून आनी ताका Institutional दर्जो दिवन Goa State Fire Force Training Center हाका upgrade करून Goa State Fire Training Academy सुरु करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## Prosecution

सभापती महोदय, Prosecution खात्याक वाटप 24 कोटी आसा.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान prosecution खात्याक तांची कर्तव्यां प्रभावीपणान पाळपा खातीर नवी कार्यालयीन सुवात दिवन घटमूट केलां. खात्यान नव्या गुन्यांवकारी कायद्याची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर कर्मचाऱ्यांक गरजेचें अपग्रेड आनी प्रशिक्षण दितले.

## SAINIK WELFARE

सभापती महोदय, राज्य सैनीक मंडळाक 4.5 कोटी रुपया आसात, तातूंतले 3 कोटी रुपया महसूल बाजून आनी 1.5 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महोदय, सद्याचे येवजणेंत chakra series खाला गॅलेंट्री पुरस्कार वाडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाचे खातीर 5 लाख रुपयांची तरतूद आसा. सैनिकांक मुळाव्या साधनसुविधांचो वापर घटमूट करपा खातीर हालींच म्हज्या सरकारान **'गोवा सैनिक आरामघर'** सुरू केलां.

## VIGILANCE

सभापती महोदय, दक्षता विभागाक १५ कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

भौशीक प्रशासनांत पारदर्शकता आनी बऱ्या प्रशासनाची खात्री करपा खातीर एक जिवंत जागृत प्रशासन गरजेचें आसा असो म्हज्या सरकाराचो खर विश्वास आसा. देखून, भौशीक क्षेत्र, स्वायत्त आनी वैधानीक संस्था, स्थानिक स्वराज्य संस्थां हांच्या सयत सरकाराच्या सगळ्या खात्यांत 'Preventive Vigilance Cell' स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जांचेर Vigilance संचालनालय नियंत्रण दवरतलें आनी तांचो Chief Vigilance Officer नियाळ घेतले. तशेंच, दक्षता खात्याच्या तंत्रीक विभागाक वाडीव मनीसबळ दिवन आनी नागरी कामांची वेळार चवकशी करपी उपकरण ह्या वरवीं घटमूट करतले.

तशेंच रितीं आशिल्लीं सगळीं पदां वेळा भितर भरून आनी कागाळींचें निवारण करून गोंय लोकायुक्ताची संस्था घटमूट करपाचो निर्णय म्हज्या सरकारान घेतला. तशेंच कुशावती आनी दक्षिण गोंय जिल्ल्याक सेवा पुरोवपाखातीर गोंयच्या दक्षिण भागांत Vigilance संचालनालयाचें शाखा कार्यालय स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां जाचें फुडारपण Additional Director हेर कर्मचाऱ्यावांगडा करतले.

## PUBLICITY, ART AND CULTURE AND LANGUAGES
## INFORMATION AND PUBLICITY

सभापती महाशय , म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याक 212.5 कोटी रुपयांची तजवीज आसा.

सभापती महोदय, Goa Outdoor Advertising Act, 2025 ची प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर Rules ह्या अर्थीक वर्सा अधिसूचित करतले जाका लागून प्रक्रिया सहज जातली आनी भायल्या जायरातींचेरूय नियंत्रण उरतले.

सभापती महाशय, म्हज्या सरकारान हालींच पत्रकारांच्या कल्याणा खातीर चालीक लायिल्ल्या चडशा येवजण्यांचो परतून आढावो घेतला. पत्रकारांच्यो मागण्यो पुराय करपा खातीर अर्थसंकल्पांत तरतूद वाडोवपाचो मानस आसा. पत्रकारां खातीर आशिल्लें म्हयन्याळें पेन्शन सध्याच्या 10,000 रुपया वयल्यान म्हयन्याक 15,000 रुपया करतले. हाजे व्यतिरिक्त, पत्रकारांक अटळ पेन्शन योजना लागू करपाचोय हांव प्रस्ताव दवरता. तशेंच कार्यरत पत्रकारां खातीर आशिल्ल्या 'Ex-Gratia' येवजणेचो नियाळ घेतले आनी पत्रकाराच्या दुर्दैवी मरणा संबंदात वित्तीय संस्था/विमो एजन्सी कडेन करार करून 5 लाखांची मजत दितले.

पत्रकारांच्या कल्याण येवजणे खातीर Goa State Photo Contest and Exhibition scheme, Assistance for purchase of laptop/camera for journalist, पत्रकार कृतज्ञता निधी and subsidy to purchase e-bike 1.5 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, गोंय राज्यांत Concert Management हाका चालना दिवपाच्या हेतान जे आयोजक राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय कलाकारांक आमंत्रीत करून concert घडोवन हाडपाक सोदता, त्या आयोजकांक प्रोत्साहन दिवपाक 5 कोटी रुपया तरतूद करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय, उत्तर आनी दक्षिण गोंयांत दरेकीं एक दोन समर्पीत Concert Zone स्थापन करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, तातूंत वीज आनी उदका पुरवण, कोयर वेवस्थापन प्रणाली आनी संरचीत पार्किंग सुविधा अशा गरजेच्या मुळाव्या साधनसुविधांची तजवीज आसतली जी एजन्सींक 'Plug and Play' मोडांत कार्यक्रम घडोवन हाडपाक सोयीस्कर मेळटली.

सभापती महाशय, येवपी अर्थीक वर्सा ESG नामनेच्या राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय संस्थां आनी उद्देगीक संस्थां वांगडा भागीदारी करून निवासी लॅब, कार्यशाळा, मास्टरक्लास, मार्गदर्शन आनी अल्पकाळ प्रमाणीकरण कार्यावळी वरवीं पटकथा लेखन, छायाचित्रण आनी उदयाक येवपी माध्यम तंत्रगिन्यानांत संरचीत upskilling सुरू करतले. गोंय भितर "Ease of Production" सक्षम करपा खातीर ESG प्रायोजक आनी सहकार्या वरवीं ध्वनी रेकॉर्डिंग, संपादन सुट, VFX, Audio मिक्सिंग/संगीत रचना आनी color ग्रेडींग स्टुडिओ अशा मुखेल उत्पादन मुळावी बांदावळ तयार करपाकय सुविधा दितली.

म्हजें सरकार गोंय राज्य चित्रपट महोत्सवाच्या इनामांचे पयशे वाडयतले आनी निर्मात्यांक, तंत्रज्ञांक, कलाकारांक आनी सह-निर्मात्यांक आदार दिवपा खातीर गोंय राज्य चित्रपट वित्त येवजणेंत पुराय सुदारणा करतलें.

## ARCHIVES, ARCHEOLOGY & GOA GAZETTEER

सभापती महोदय, ह्या खात्यांक वट्ट 59 कोटी रुपयांची तरतूद आसा, तातूंतले 31 कोटी महसूल खातीर आनी 28 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महोदय, म्हजें सरकार फुडले पिळगेखातीर अभिलेखागार संकलन, जतन, प्रचार आनी संवर्धन करपा खातीर 'संकलन - संवर्धन - संरक्षण' ह्या विशयाचेर लक्ष केंद्रीत करतलें.

सभापती महाशय, पोर्तुगेजांनी नश्ट केल्ल्या देवळांचें स्थळ दिवार जुंव्याचेर 'कोटी तीर्थ कॉरिडोरचें' काम ह्या वर्सा सुरू जातलें जें राज्यांतल्या आध्यात्मिक पर्यटनाक चालना दिवपी एक मुखेल पर्यटन आकर्शण आसतलें.

सभापती महोदय, म्हज्या सरकारान गोंयच्या tangible, intangible आनी eco-cultural दायजाचें संवर्धन, जतन, दस्तावेजीकरण, शिक्षणीक एकात्मता, समाजाचो सहभाग, व्याख्या आनी शाश्वत वापरा खातीर एक व्यापक चौकट दिवपी 'Goa State Heritage Policy-2025' ची अधिसुचोवणी केल्या. हें धोरण देशांतलें पयलें अधिसुचीत केल्लें राज्य पातळेचें दायज धोरण आसा.

सभापती महाशय , राज्य दायज धोरणाच्या अनुरूप हांव 'The Goa Heritage House Conservation and Adaptive Reuse Assistance Scheme' सुरू करपाचो प्रस्ताव मांडटां. वास्तुशिल्प दायजाची राखण, खाजगी दायज मालमत्ते खातीर प्रोत्साहन आनी दायज संरचनेचो अनुकूल पुनर्वापर हांचो आस्पाव हे येवजणेंत आसतलो. भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण खाला संरक्षण नाशिल्ल्या शंबर वर्सां परस चड पिरायेच्या खाजगी मालकीच्या दायज घरांक योग्यताय तत्वाचेर अनुदान मजत दितले.

महाशय, दायज संवर्धन, विकेंद्रीत दायज शासन आनी दायज मालमत्तेची राखण हातूंत समाजान वांटो घेवचो म्हूण 'Local Heritage Conservation Committees Scheme at Panchayat and Urban Local Body Level' चालीक लावपाचोय प्रस्ताव हांव मांडटां. हे येवजणे खाला थळाव्या दायज मालमत्तेची वळख, मुळावे दस्तावेजीकरण आनी सांबाळ करपाखातीर थळावे दायज संवर्धन समिती घडयतले.

सभापती महोदय, मनीसजातीच्या सामुहीक स्मृतीची राखण करपा खातीर, इतिहासीक, संस्कृतीक आनी वैज्ञानिक वारशाचे प्रामाणिक, प्रत्यक्ष ज्ञान प्रदान करपाखातीर ह्या अर्थीक वर्सा सावन हांव राज्यांत उपलब्ध आशिल्ल्या राष्ट्रीय म्हत्त्वाच्या manuscriptचें सर्वेक्षण आनी डेटा बेस तयार करपाखातीर "गोंयचें अभिलेख सर्वेक्षण येवजण" ही एक नवी येवजण सुरू करपाचो प्रस्ताव दवरता, जाचो उद्देश गोंयचो म्हायतीपट वारसो फुडले पिळगेखातीर जतन करून दवरप हो आसा.

महाशय, दायज manuscriptची राखण करप हो आमचो उद्देश फुडें व्हरपा खातीर आनी सरकारी संस्थां भायर व्याप्ती वाडोवपा खातीर हांव खाजगी संग्रहांक **"गोंय ज्ञान भंडार संवर्धन येवजण"** हे नवे येवजणे वरवीं अर्थीक मजत दिवपाचो प्रस्ताव मांडटां. ह्या भंडारांक आदार

दिवपाच्या हेतान, तांचेकडे उपलब्ध आशिल्लीं हातबरपां डिजिटल करप, सांबाळप आनी वैज्ञानिक नदरेन सांबाळप हो ह्या येवजणेचो हेत आसा.

सभापती महाशय 2026 वर्सा गोंय क्रांती दिसाचो 80वो वर्धापन दीस. हे संबंदीं गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासा संबंदीत एक खाशेलें प्रदर्शन घडोवन हाडपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां आनी स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांच्यो कांय अप्रकाशित खटल्यांच्यो फायलीय उजवाडाक येतल्यो. गोंयच्या स्वातंत्र्या खातीर केल्ल्या संघर्शाच्या स्मारकांचेर 'कॉफी टेबल पुस्तक' गोंय गॅझेटीयर खात्या वरवीं उजवाडावपाचोय प्रस्ताव आसा.

सभापती महाशय, गोंय संबंदीत कितलेशेच नोंदी पोर्तुगालांतल्या भौशीक आनी खाजगी अभिलेखागारांत उपलब्ध आसात. लिस्बनांतल्या Overseas Historical आर्काइव्ह्सांत दस्तावेजीकरण भरपूर आसा, तातूंत खूब उपेगी म्हायती आनी गोंय संबंदीत इतिहासीक म्हत्वाचीं जायतीं हातबरपां आसात. तेच प्रमाण लिस्बनांत ताम्रपत्रां आसात जीं पोर्तुगेज काळापयलींच्या काळांतल्यो आसात. हालींच भारत सरकाराच्या External Affairs मंत्रालयान पोर्तुगाल सरकाराची परस्पर नोंदींचो आदान-प्रदान करपाची तयारी कळयल्या, जाका लागून राज्यांतल्या पोर्तुगेज सत्तेविशीं चड म्हायती मेळटली.

सभापती महाशय , 'National Destination Digital Knowledge Grid' हो देशांतल्या सांस्कृतीक, आध्यात्मिक, आनी इतिहासीक दायज थळांचो एक व्यापक डिजिटल भंडार तयार करपा खातीर भारत सरकारान केंद्रीय अर्थसंकल्पांत 2026-27 वर्सा जाहीर केल्लो एक मुखेल उपक्रम आसा. उल्लेख केल्ले येवजणे प्रमाण आनी विकसित गोंय खातीर डिजिटल दायजाच्या आमच्या दृश्टीकोना खाला, म्हजें सरकार 'नॅशनल डेस्टिनेशन डिजिटल नॉलेज ग्रिड – गोंय' स्थापन करतले.

20 वर्सां पयलींचे विविध खात्यांच्या अखत्यारीत येवपी सरकाराचे म्हत्वाचे दस्तावेज तिगोवन दवरपा खातीर **'Goa State Record Retention Policy'** करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## ART AND CULTURE

सभापती महाशय , कला आनी संस्कृती खात्याक 270 कोटी रुपया मंजूर केल्यात.

सभापती महाशय, वारकरी संप्रदायान चलयल्ल्या पंढरपुर वारी परंपरेक आदार दिवपा खातीर हांव एक नवी येवजण "मुख्यमंत्री वारकरी सहाय येवजण" चालीक लावपाचो प्रस्ताव मांडटां जी गोंयभरांतल्या वारकरी गटांक दर वर्सा चलत वारी व्हरपा खातीर अर्थीक मजत दितली. हे खातीर 1 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

कला आनी संस्कृतायेच्या प्रचारांत सक्रीयपणान वावुरपी गटांक अर्थीक मजत दिवपाची येवजण फामांद गोंयकार कलाकार भारत रत्न लता मंगेशकराक फावो ती श्रद्धांजली म्हणून 'भारत रत्नलता मंगेशकर अर्थ सहाय योजना' अशें नांव दितले.

कला सन्मान येवजणेचे नाव बदलून 'लयभास्कर खाप्रूमाम पर्वतकर कला सन्मान' येवजण सुदारीत रीत्या चालीक लायतले. ह्या येवजणेखाला ह्या वर्सासावन आर्थिक मदद वाडोवपाची घोषणा हांव करता.

सभापती महोदय, कुडचडेच्या रविंद्र भवनाच्या दुसऱ्या टप्प्याचें बांदकाम ह्या अर्थीक वर्सा 25.43 कोटी रुपया खर्च करून पुराय जातलें. सांगें आनी पेडणें हांगा रवींद्र भवनां खातीर जमीन

पयलींच थारायिल्ली आसा आनी प्राथमीक तयारी निर्णयाच्या पांवड्यार आसा हें सांगपाक म्हाका खोस जाता. ह्या अर्थीक वर्सा ह्या रविंद्र भवनांचें बांदकाम सुरू जातलें. केंद्र सरकाराच्या आदारान राज्यभरांतल्या ग्रामपंचायतींनी आनी नगरपालिकांनी आशिल्ल्या सगळ्या 168 e-वाचनालयांची 74.50 कोटी रुपया खर्च करून उदरगत जातली.

## MUSEUMS

सभापती महोदय, संग्रहालय विभागाक 15 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महोदय, हांव पणजे हांगसरल्या पोरन्या सचिवालयांतल्या गोंय राज्य संग्रहालयाच्या सद्याच्या इमारतींत सुदारणा करपाचो आनी अधिक गॅलरी उभारपाचो प्रस्ताव दवरता. तशेंच, Ela, Old Goa हांगा "गोवा राज्य संग्रहालय" खातीर नव्या इमारतीचे बांदकाम ह्या वर्सा सुरु जातलें . राज्यांतल्या बऱ्या प्रमाणांत स्थापन जाल्ल्या खाजगी संग्रहालयांक दरेकीं 1 लाख रुपया वार्षीक अनुदान दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

## OFFICIAL LANGUAGE

सभापती महोदय, राजभास खात्याक 15.5 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, म्हज्या सरकारान 2026 वर्सा सावन “अस्मिताय दीस” ही राज्य पांवड्यावेली कार्यावळ अधिकृतपणान मनोवपाक सुरवात केल्या हें सांगपाक म्हाका खोस जाता. ह्या इतिहासीक ओपिनियन पोल दिसाच्या निमतान राज्यभरांत वेगवेगळ्यो कार्यावळी जातात.

सभापती महाशय, गोंयकार साहित्यकारांनी कोंकणी आनी मराठी भाशेंत तयार केल्लें उच्च दर्जाचें साहित्य हेर भाशांनी अणकारीत करून राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार गोंयकार साहित्य दाखोवपाची गरज आसा. ते खातीर गोंयच्या कोंकणी आनी मराठी लेखकांनी तयार केल्ल्या गोंयच्या उच्च दर्जाच्या साहित्याच्या अणकारांक आदार दिवपाच्या हेतान एक **‘कोंकणी भाषा उदरगत योजना’** करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां जाचे खातीर 10 लाख रुपयांची तजवीज केल्या. **दिसपट्ट्या प्रशासनांत कोंकणी भाशेचो वापर आनीक वाडोवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.**

ह्या अर्थीक वर्सा ‘राजभाशा प्रसार’ येवजणेखातीर 10 लाख रुपयांची तजवीज केल्या. तशेंच नेमान मराठी आनी कोंकणींत नेमाळीं उजवाडावपी प्रकाशकांक फायदो जावचो म्हूण सद्याचे **‘राजभाषा अक्षर मित्र’** येवजणेंत योग्य रितीन बदल करतले.

सभापती महाशय, कोंकणीं आणि मराठीतल्यान हेर भाशांनी साहित्याचो अणकार लोकप्रिय करपा खातीर म्हज्या सरकारान 70 परस चड नवोदित अणकारप्यांक प्रशिक्षण दिलां. ह्या अर्थीक वर्साय हेच कार्यक्रम चालू उरतले. तशेंच सुमार 891 केंद्रीय कायद्यांचो कोंकणी/मराठी भाशेंत अणकार करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय , कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा मराठी अकादमी, गोवा कोंकणी अकादेमी, गोवा दाल्गादो कोंकणी अकादमी आदी वेगवेगळ्या संस्थांक आदार दिवपाच्या हेतान जीं मुखेलपणान भास आनी साहित्याच्या प्रचाराक वावुरतात, तांचेखातीर वट्ट 7 कोटी रुपयांची तरतूद केल्यात.

## SPORTS AND YOUTH AFFAIRS

सभापती महाशय , खेळां आनी युवा वेव्हार खात्याक 251 कोटी रुपया मंजूर केल्यात, तातूंतले 176 कोटी रुपया महसूलाखातीर जाल्यार 75 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

राज्यांतल्या खेळां संस्कृतायेची उदरगत सुनिश्चीत करपा खातीर तशेंच indoor आनी outdoor मैदाना आनी stadiums योग्यरित्या वापरान घालपाखातीर थळाव्या क्लबांक आनी sports association हांका आपल्या क्षेत्रांतल्या खेळां सुविधांचो वापर करपाक परवानगी दिवपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महाशय , मडकय हांगा खेळां संकुल, साओ जोस द एरियाल हांगा फुटबॉल मैदान, कुडतरी हांगा व्हिलेज स्कूल मैदान, फातोर्डा हांगा जॉगिंग ट्रॅक, वड्डे सांगें हांगा शाळेचें खेळां मैदान, कुडका हांगा खेळां मैदान आनी कुंभारजुवा हांगा स्कूल मैदान बांदपाचें काम ह्या वर्सा पुराय जातले आनी ताका वट्ट 33.77 कोटी रुपया खर्च येतलो.

विविध खेळां मैदानाच्या development काम 61.31 कोटी रुपया खर्च करून ह्या वित्तीय वर्सा सुरू करतले.

सभापती महोदय, भारतभरांतल्या नामनेच्या खेळां अकादेमी/केंद्रांनी प्रशिक्षण घेवपी गोंयांतल्या ST समाजांतल्या प्रतिभावान खेळगड्यांक अर्थीक आदार दिवपा खातीर **'एकलव्य खेळगडी प्रोत्साहन येवजण'** नांवाची नवी येवजण सुरू करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाचे खातीर 50 लाख रुपयांची तरतूद आसा.

## LAW AND JUDICIARY

## LAW

सभापती महाशय , कायदो खात्याक 110 कोटी रुपयांची तरतूद आसा, तातूंतले 67 कोटी महसूल जाल्यार 43 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

सभापती महाशय, मडगांव हांगा 30 कोटी रुपया खर्चून चालू आशिल्ल्या 'New Civil and Criminal Court' इमारतीचें बांदकाम 65% मेरेन जालां आनी अंदूं तें काम पुराय जावपाचें आसा.

## NOTARY SERVICES

सभापती महाशय , नोटरी खात्याक 45 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

सभापती महाशय, म्हजें सरकार आपल्या Registration नोंदणी प्रणालीक Next-Gen Digital Ecosystem प्रणालीन आधुनीक करपाचो प्रस्ताव मांडटा, जाचो हेतू paperless and cashless transaction करपाचो आसा. तातूंत ऑनलायन दस्तावेज तयार करप, डिजिटल signature आनी बायोमेट्रीक authentication सारकिलीं खाशेलपणां आसपावीत केल्यात. म्हज्या सरकारान storage issues, document degradation आनी preservation and accessibility सुदारपा खातीर पोरन्या registration नोंदींचो 'मायक्रोफिल्मिंग आनी मायक्रोफिशिंग' करपाचोय प्रस्ताव मांडला. हे सगळे उपाय चालीक लावपा खातीर 13 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

माननीय सभापती महोदय, नोंदणी नाशिल्ल्या वेव्हारांच्या नियमितीकरणा खातीर "One Time Amnesty Scheme" चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां, जाका लागून नागरिकांक हक्क नियमित करपाक आनी कायदेशीर मालकी सुरक्षीत करपाक मेळटली.

## MISCELLANEOUS

## Public Grievance

सभापती महोदय, Public Grievance खात्याक 3.50 कोटी रुपयांची तजवीज आसा.

म्हज्या सरकारान सगळ्या खात्यांतल्यान भौशीक तक्रार निवारण यंत्रणा घटमूट करपाखातीर पावलां उबारल्यांत. Public Grievance Department वेवस्थीत सुदारतले आनी Right to Time Bound Delivery Act of Public Services कायदो अंदूं खरपणान लागू जातलो.

## Printing and Stationery

सभापती महाशय , प्रिंटिंग आनी स्टेशनरी खात्याक 35 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या, तातूंतले 21 कोटी रुपया महसूलांखातीर जाल्यार 14 कोटी भांडवल खर्चा खातीर आसात.

म्हजें सरकार पुराय printing and stationery खात्यांत सुदारणा करतलें, जाका लागून साहित्य बेगीन पावोवपाची सुविधा मेळटली, inventory नियंत्रणांत सुदारणा जातली, पारदर्शकता वाडटली आनी Manual Paperwork काडून उडोवप जाका लागून पुराय प्रक्रिया कार्यक्षम आनी paperless जातली.

## COMMERCIAL TAXES

सभापती महोदय, वेपारी कर खात्याक 58 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

करदात्यांचो आदार वाडोवन, गळतीचेर आळाबंदा हाडून आनी सद्याच्या करदात्यां मदीं पालन सुदारून वर्सुकी 6,945 कोटी रुपयांची येणावळ एकठांय करपाचें लक्ष्य दवरलां.

विक्रेत्यांक बरी सेवा दिवपा खातीर State Tax खात्याचें बिचोली वॉर्ड कार्यालय स्थलांतरीत करपा खातीर म्हज्या सरकारान बोर्डा-बिचोली गोवा हाउसिंग मंडळ संकुलांत 4.6 कोटी रुपयांची नवी सुवात घेतल्या.

## EXCISE

सभापती महोदय, अबकारी खात्याक 34 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

सभापती महाशय, Excisable वस्तूंचेर खर नियंत्रण दवरपा खातीर 'ट्रॅक अँड ट्रेस' पद्दती वांगडाच QR कोड आशिल्लीं उच्च सुरक्षा लेबलां चालीक लावपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां.

सभापती महोदय, सध्या फकत मार्च म्हयन्यांत नूतनीकरण करचे परस वर्साच्या खंयच्याय वेळार आदींच नूतनीकरण करपाक मेळचें म्हणून Excise Rules दुरुस्ती करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. फुडें, परवानोधारकाक पांच वर्सां वा तीन वर्सां खातीर परवान्यांचें नुतनीकरण करपाक मेळटलें अशी तरतूद करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां आनी अशे तरेन दर वर्सा ताणी अबकारी केंद्राक भेट दिवपाची गरज पडची ना.

सभापती महाशय, नवे सोऱ्याचे दुकान आनी रेस्टॉरंट उगडपाचेर प्रभावीपणान नियंत्रण दवरपा खातीर नवें अबकारी परवानो शुल्क 20 लाख रुपया करपाचो प्रस्ताव हांव मांडटां. त्याभायर बिगर गोंयकाराक अबकारी परवानो हस्तांतरित करपा खातीर शुल्कूय 25 लाख रुपया मेरेन वाडयतले.

सभापती महाशय, जगातल्या सगळ्यांत व्हड अश्या लोकशाही वेवस्थेचे आमी ध्वजधारक आसात. आमची कार्यप्रणाली Of The People, For The People and By The People ह्या विचारांक पूरक जावन आसा.

सभापती महाशय, सामान्य नागरिकांचेर अनाठायी कर-वाढीचो भार घालीनासताना आणि योग्य आर्थिक नियोजनातल्यान राज्याचे प्रशासन चलोवप ही म्हज्या सरकारची नीती जावन आसा! ह्याच सूत्राक धरून अंदु वर्साय हांव कसलीच कर-वाढ जावची ना हे जाहीर करतां!

"राष्ट्र प्रथम" ही भावना सदांच म्हज्या प्रशासनशैलीची मार्गदर्शक शक्ति जावन आसा. महिला, युवा, ज्येष्ठ नागरिक, शेतकरी अश्या समाजघटकांच्या सर्वांगीण विकासाक प्राथमिकता दितना, Ease of Doing Business चो अवलंब करून औद्योगिक क्षेत्राक आवश्यक बळ दिवपाचो तशेंच प्रगत विज्ञान-तंत्रज्ञान आणि Artificial Intelligence हांच्या वापरातल्यान एक घटमूट बांदावळ आसपी, वास्तवाचे भान दवरून भविष्याचो वेध घेवपी वेवस्था निर्माण करपाचो म्हजो मुखेलमंत्री ह्या नात्यान हावेस आसा.

निमण्या सुवातेर, हांव काळजातल्यान कृतज्ञता व्यक्त करता म्हज्या मोगाळ गोंयकारांक आणि सभाघरातले समेस्त वांगडी हांका की तांच्या आशिर्वादान हांव मुखेलमंत्री म्हण 2019 वर्सा सावन सलग सातवे फावट जनतेच्या इच्छा आकांक्षांची पूर्तता करपी बजेट सादर करपाचो म्हाका भोवमान लाभलो. हाचे फुडेंय जनतेचो आशीर्वाद मेळटलो हाचो ठाम विश्वास आसा.

ह्या अर्थसंकल्पाक सर्वसमावेशक करपाखातीर मोलादीक सुचोवण्यो दिवपी समाजाच्या विविध स्तरातले घटक हांकाय हांव देव बरें करू म्हणटा.

देशाच्या सीमांचे रक्षण करपी तशेच Operation Sindoor सारख्या धाडसी कार्यातल्यान देशाची मान अभिमानान उंच करपी सशस्त्र दलांचे वीर सैनिक, उद्योजक, श्रमिक कामगार, विद्यार्थी, खेळगडे अश्या समाजाच्या विविध घटकांक कृतज्ञता व्यक्त करून; Viksit Bharat 2047 आणि Viksit Goa 2037 हयाखातीर समेस्त जनतेन एकजुटीन काम करपाक फुडे सरपाचो हांव उलो मारतां आणि मागतां की,

*ज्ञान के विज्ञान के भी क्षेत्र में हम बढ़ चलेंगे।*
*नील नभ के रूप के नव अर्थ भी हम कर सकेंगे,*
*भोग के वातावरण में त्याग का संदेश देंगे,*
*त्रास के घने बादलों से सौख्य की वर्षा करेंगे ,*
*स्वप्न यह साकार करने संगठित हो देश सारा,*
*संकटो पर मात कर यह राष्ट्र विजयी हो हमारा!!*

ही भावना घेवन आमी एक भांगराळे आणि स्वयंपूर्ण गोंय निर्माण करूया.

हांव आणि म्हजे मंत्रिमंडळातले वांगडी कसलोच भेदभाव करीनासताना साधनसुविधा विकास, शिक्षण, उद्योग, उद्योजकता तशेच दयानंद सामाजिक सुरक्षा, लाडली लक्ष्मी, गृह आधार, म्हजी बस, म्हजे घर अश्या विविध लोककल्याण योजनांच्या लाभार्थी गोंयकारांक आश्वस्त करता की तुमका "भिवपाची गरज ना!"

जय हिंद! जय गोंय !!